# समजणेचें माध्यम

## राष्ट्रीय परिसंवाद 2008-1010 चेर आदारीत



*आमीय बी इश्कोलांत आशिल्ले जाल्यार...*



आमचे मायभाशेंत आयकतले आशिल्ले

समजून घेतले आशिल्ले

सांगूंक पावतले आशिल्ले

नवीं झाडां रुजोवंक पावतले आशिल्ले

# समजणेचें माध्यम

राष्ट्रीय परिसंवाद 2008-2010 चेर आदारीत

विद्यया ऽमृतमश्नुते

एन सी ई आर टी
NCERT

राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ
NATIONAL COUNCIL OF EDUCATIONAL RESEARCH AND TRAINING

**32143 — Samajh ka Madhyam**
**Rashytriya Parisamvad 2008–2010 per Aadharit (Konkani Language)**

**ISBN 978-93-5292-706-7**

**First Edition**

*August 2024 Shravana 1946*

**PD 1T BS**

© ***National Council of Educational Research and Training, 2024***

**₹ 65.00**

*Printed on 80 GSM paper with NCERT watermark*

Published at the Publication Division by the Secretary, National Council of Educational Research and Training, Sri Aurobindo Marg, New Delhi 110 016 and printed at Taj Printers, 69/6A, Najafgarh Road Industrial Area, Near Kirti Nagar Metro Station, New Delhi 110 015

**ALL RIGHTS RESERVED**

- No part of this publication may be reproduced, stored in a retrieval system or transmitted, in any form or by any means, electronic, mechanical, photocopying, recording or otherwise without the prior permission of the publisher.
- This book is sold subject to the condition that it shall not, by way of trade, be lent, re-sold, hired out or otherwise disposed of without the publisher's consent, in any form of binding or cover other than that in which it is published.
- The correct price of this publication is the price printed on this page, Any revised price indicated by a rubber stamp or by a sticker or by any other means is incorrect and should be unacceptable.

**OFFICES OF THE PUBLICATION DIVISION, NCERT**

NCERT Campus
Sri Aurobindo Marg
**New Delhi 110 016** **Phone : 011-26562708**

108, 100 Feet Road
Hosdakere Halli Extension
Banashankari III Stage
**Bengaluru 560 085** **Phone : 080-26725740**

Navjivan Trust Building
P.O.Navjivan
**Ahmedabad 380 014** **Phone : 079-27541446**

CWC Campus
Opp. Dhankal Bus Stop
Panihati
**Kolkata 700 114** **Phone : 033-25530454**

CWC Complex
Maligaon
**Guwahati 781 021** **Phone : 0361-2674869**

**Publication Team**

Head, Publication Division : *Anup Kumar Rajput*

Chief Production Officer : *Arun Chitkara*

Chief Editor : *Bijnan Sutar*

Chief Business Manager : *Amitabh Kumar*

Assistant Production Officer : *Deepak Kumar*

*सुदारीत आवृत्ती*
*2024*

# परगटावणी

भुरग्यांचें सुरवेचें शिक्षण म्हणल्यार भास–शिक्षणच आसता. हाकाच लागून राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020 न परतून एक फावट आवयभाशेंतल्या शिक्षणाचो नेटान पुरस्कार केला. हाच्या आदले शिक्षणा संबंदांतले सगले दस्तावेज लेगीत आवयभाशेच्या माध्यमांतल्यान शिक्षणाची सुचोवणी दीत आयल्यात. भारत एक भोवभाशी देश आसा. हाका लागून सगल्या भुरग्यांचें शिक्षण सहजतायेन आनी अखंड गतीन फुडें व्हरपाचे नदरेन भारतीय भासांक शिक्षणाचें माध्यम करपाची गरज आसा. आवयभाशेंतलें शिक्षण सगल्या विशयांक घटमूट आदार दिवंक मदत करता. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 भितर अशें स्पश्टपणान म्हणलां, ग्रेड–5 मेरेन आवयभाशेच्या माध्यमांतल्यानच शिक्षण जावचें. ग्रेड–8 आनी ताच्या मुखा वयल्या यत्तांनी लेगीत हे यत्न चालू उरचे. भोवभाशिकतायेक उर्बा दिवपाचे नदरेन विज्ञान आनी हेर विशयांनी आवयभाशेंत उत्कृश्ट पाठ्य–सामुग्री तयार करची. हाका लागून भुरग्यांची भाशा आनी शाळेंतली भाशा हांचे मदलें अंतर उणें जातलें आनी भासां मदीं घटमूट पूल निर्माण जातलो. त्या पुलाची बुन्याद आवयभास आसतली.

हे महत्वपूर्ण येवजणेंत वांटो घेतिल्ल्या देशांतले विंगड–विंगड जाणकार आनी भाशा शिक्षण विभाग हांची भुमिका महत्वपूर्ण आसा आनी ते खातीर त्या सगल्यांचे उपकार. हें पुस्तक भुरग्यांच्या शिक्षणा विशीं वावर करपी विंगड विंगड राज्यांतल्या येवजणकर्त्यांक एक आदार पुस्तक म्हण उपकाराक पडटलें.

दिनेश प्रसाद सकलानी,
संचालक
राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ

नवी दिल्ली
मार्च, 2023

*पयली आवृत्ती*

*2010*

# परगटावणी

परकी शेका खाला उरिल्ल्या समाजांतल्या भुरग्यांच्या आनी तांच्या शिक्षणांतल्या भाशांची भुमिका साबार तरांच्या विसंगतींनी भरल्या. ह्या विसंगतींचेर विचार करपा खातीरचे यत्न लेगीत जायते फावट समाजीक मतमतांतरां आनी राजकी वादांनी घेरल्यात. हाका लागून शिक्षणा कडेन संबंदीत भास-निती जायतो तेंप भासाभास आनी शोध हांचे फासके भायरच उरल्या, हातूंत अजाप ना. ही स्थिती बदलपाच्या उद्देशान एन.सी.ई.आर.टी.न ङ्गसमजणेचें माध्यमम ह्या माथाळ्या खाला परिसंवादाच्यो मालिका घडोवन हाडिल्ल्यो. उदयपूर, पाटणा, वाराणसी आनी दिल्ली हांगा घडोवन हाडिल्ल्या ह्या परिसंवादांचो फोकस इश्कोलांच्या दीसपट्ट्या उपक्रमांनी विद्यार्थ्यांचे जिणेंतल्या भाशे विशींच्या अणभवांची विसकावणी करप, हो आशिल्लो. भाशेच्या प्रयोगा संदर्भांत शिक्षण धोरणा विशीं खूब तेंपा सावन पडून आशिल्ली चर्चा परतून नव्या रुपांत सुरू जावची, हो यत्न आशिल्लो. हें पुस्तक त्याच यत्नांचें एक मुखा वयलें पावल म्हूण उडवाडाक येता.

वयल्या चारूय परिसंवादांनी उप्राशिल्ले प्रस्न आनी तांकां जापो सोदपाचे नदरेन वापरिल्ल्या तर्कांक आदार दिवपाचे नदरेन ह्या पुस्तकांतली बरपावळ केल्या. ह्या पुस्तका वरवी भुरग्यांच्या शिक्षणा विशीं आस्था आशिल्ले नागरीक - जातूंत शिक्षक, तांचे प्रशिक्षक, अधिकारी, लोक-प्रतिनिधी, समाजीक संघटनांचे कार्यकर्ते आनी आवय-बापूय हांचो आसपाव जाता, हे सगळे जाण शिक्षणाच्या भाशेच्या प्रस्नां संबंदी चिंतूंक आनी भासाभास करूंक मुखार सरतले. अशे तरेची भासाभास आयजचे घडयेक इतिहासीक गरज जावन आसा. भुरग्यांचे मायभाशेच्या म्हत्वाक पुनर्स्थापीत करपाचो परतून एक फावट यत्न ङ्गशिक्षणाचो अधिकारफ ह्या कायद्यान केला. तातूंत शिक्षणांत वसाहतकालीन इतिहासाचे परंपरेंतल्यान निर्माण जाल्ल्या मानसीक आनी समाजीक बंधनांतल्यान मुक्त करपाची शक्त आसा. सबावीकपणान, खंयच्याय कायद्यांत आसपाविल्ली शक्त उक्तावपा खातीर समाजाच्या आनी संस्थांच्या पालवाची गरज आसता. इंग्लीश माध्यमांतल्या इश्कोलांचें कार्यचलन वास्तविकतायेक धरून तर नाच, त्याभायर ती एक जटील संस्कृतीक समस्या लेगीत जावन पडल्या. देखून हे गजालीचेर भासाभास घडोवन हाडुंकूच त्या खंयच्याच परिवर्तनाची आस्त बाळगूं येता.

राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाचे रचणुकेंत (2005) परिवर्तनाची दिशा आनी स्वरूप हांचे

नदरेन फावो ते संकेत दिल्ले. ह्या संकेतांचें खोलायेन स्पश्टीकरण भारतीय भासो आनी इंग्लीशीचें शिकप हांचे कडेन संबंदीत राष्ट्रीय फोकस पंगडाच्या निवेदनांनी दिलां. ह्या दोनूय दस्तावेजांची वर्गांतल्या शिक्षण-माध्यमाक भुरग्यांचे समजणेच्या सबावीक विकासक्रमाच्या मनोविज्ञानीक संदर्भांत मांडप गरजेचें आसा.

ह्या संदर्भांतलो एक म्हत्वपूर्ण आयाम म्हणल्यार भारताचें भोवभाशी वातावरण. आमचीं भुरगीं जल्मा सावनच भोवभाशीक वातावरणांत जगतात आनी ह्या वातावरणांत आपसूंक आशिल्ले आपल्या सबावीक आनीक बौद्धीक विकासक्रमांत आपणायतात. देखून गरज अशी आसा, आमी शिक्षण-वेवस्थेंत भाशेचो अभ्यास आनी माध्यम-भाशेच्या प्रस्नाक धरून आशिल्ली आडखळ ह्या एक व्हड परिप्रेक्षांत दवरून समजूंक जाय.

म्हाका विस्वास आसा, हें पुस्तक भाशे विशींचीं धोरणां आनी उपक्रमांक एके नवे नदरेन तपासून पळोवंक बुन्यादी भुमिका निभायतलें. परिशदेचे वतीन हांव सगळ्या सहभागी जाणकारांचे उपकार आठयतां, जांणी ङ्गसमजणेचें माध्यमम परिसंवादांनी वांटो घेतलो. त्या परिसंवादांतले चर्चेक पुस्तक रुपांत हाडून भोवच कश्ट घेवन ते चर्चेक पुस्तकाचें रूप दिल्ले खातीर हांव भाशा विभागाच्यो डॉ. संध्या सिंह आनी डॉ. कीर्ति कपूर हांचे उपकार आठयतां. भाशा विभागाचे अध्यक्ष प्रोफेसर रामजन्म शर्मा हांचें हांव उपकार मानतां, जांणी परिसंवादाच्यो कार्यावळी व्हडा उमेदीन घडोवन हाडल्यो. म्हाका आस्त आसा, ह्या पुस्तकाच्या प्रचार-प्रसाराक लागून राज्य पावंड्या वयल्या संस्थांक भाशे संबंदी  प्रस्नांचेर खोलायेन विचार करूंक उर्बा मेळटली.

कृष्ण कुमार
संचालक
राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ

नवी दिल्ली
मार्च, 2010

# प्रस्तावना

आमची जीण आनी संस्कृताये भितर भाशेक एक अपरिहार्य सुवात आसता आनी भाशाच संस्कृतायेक आकार दिता. ती आमची अस्मिताय आनी वळख लेगीत आसा. तेचप्रमाण आवयभाशेंतलें शिक्षण भुरग्यांचें समाजीक आनी जाणिवेचे उदरगतीक चालना दिता.

ङ्गसमजणेचें माध्यमम ह्या माथाळ्याचें पुस्तक 2008–2010 मजगतीं जाल्ल्या देशव्यापी विचार–विमर्शाचेर आदारून मुळावें हिंदी भाशेंत तयार केल्लें. आता राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020 च्यो सुचोवण्यो आपणायता आसतना सांप्रत हें गरजेचें आसा, पुराय देशांतल्या शिक्षणीक संस्थां मेरेन हें पुस्तक तांचे तांचे भाशेंत पावचें. देखून मुळावे हिंदी भाशेंतल्या ह्या पुस्तकाचो 23 भासांनी अनुवाद करून सगल्यां मेरेन पावोवपाचो यत्न चालू आसा. हें पुस्तक ह्याच यत्नांक फुडें व्हरपा खातीर उजवाडाक येता. चारूय कार्यशाळांनी उपस्थित केल्ल्या प्रस्नांक आनी तांच्यो जापो सोदपाचे नदरेन वापरिल्ल्या तरकांचो आदार घेवन ह्या पुस्तकाचो आशय निश्चित केलां. म्हाका विस्वास आसा, हें पुस्तक भाशे संबंदीची धोरणां आनी उपक्रम नवें तरेन सोदून काडपा खातीर बुन्यादी भुमिका निभायतलें. मंडळाचे वतीन हांव ङ्गसमजणेचें माध्यमम कार्यशाळेच्या मालिकांनी वांटो घेतिल्ल्या सहभागी व्यक्तींचे उपकार आठयतां. हें महत्वपूर्ण येवजणेक उर्बा दिवपी तत्कालीन संचालक प्रो. कृष्ण कुमार हांचे खासा उपकार मानतां. तांच्या संचालकी मार्गदर्शना खाला हो वावर शक्य जालो. म्हाका खात्री आसा, ह्या पुस्तकाच्या प्रचार–प्रसाराक लागून राज्यस्तरीय संस्थाक भाशे कडेन संबंदीत प्रस्नाचेर खर विचार करपाची प्रेरणा मेळटली.

संध्या सिंह
प्रोफेसर आनी अध्यक्ष
भाशा शिक्षा विभाग
राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ

# पुस्तक निर्माण समिति

**लेखन आनी समन्वयः**
डॉ. संध्या सिंह, प्रोफेसर आनी अध्यक्षा, भाशा शिक्षण विभाग, एन.सी.ई.आर.टी.

**आदार**
किर्ती कपूर, प्रोफेसर, भाशा शिक्षण विभाग, एन.सी.ई.आर.टी.

**अणकार**
प्रो. भूषण भावे
प्राचार्य, विद्या प्रबोधिनी वाणिज्य, शिक्षण, संगणक आनी
वेवस्थापन महाविद्यालय, पर्वरी, गोंय

- शिक्षणाचें माध्यम जर आवयभास आसत जाल्यार भाशीक आनी संस्कृतीक दुराय पयसावंक ताची मदत जातली. भुरग्याची घरांतली भास आनी इश्कोलांतली भास हांकां जोडप ही इश्कोलांची पयली भुमिका आसूंक फावो.
- मुळावें शिक्षण म्हणल्यार एके तरेन भाशा शिक्षणूच. गणीत, पर्यावरण आनी समाजा विशींची मुळावी माहिति लेगीत आवयभाशेंतल्यानच बरे तरेन आपणावं येता.
- सगल्या पांवड्यांचेर आवयभाशेंत/प्रादेशीक-भाशेंत शिकोवप चालू दवरूंक जाय, हाचें कारण ह्या भासांनी क्षमतायांचो (तांकींचो) विकास जाल्ल्यान भुरग्याच्या मानसीक विकासाचीं आनी संप्रेरणेचीं सगलीं माध्यमां उकतीं उरतात, जाका लागून आपापसांतले संबंद सवस्तकायेचे जातले आनी भुरग्याची संकल्पनांची स्पश्टताय लेगीत वाडटली.
- सुरवेच्या शिक्षणाचें माध्यम भुरग्याची आवयभासच आसलें जाल्यार भुरग्याची बुन्यादी-जाणवाय, ताची भाशीक तांक आनी मानसीक विकास हांचो योग्य उपेग जावंक शकतलो.
- भुरग्याची घरांतली भास, आशीकुशीच्या वातावरणांतली भास आनी इश्कोलांतली भास हांचे मदीं एक जोडणी वा पूल निर्माण जावचो हाचे खातीर सेगीत यत्न करीत रावंक जाय. इतलेंच न्हय तर इंग्लीश माध्यमाच्या इश्कोलांनी लेगीत भुरग्याचे आवयभाशेक मध्यस्थ भाशेच्या रुपांत प्रोत्साहन दिवंक जाय, जाका लागून इश्कोल बदली नासतना ताका एका माध्यमांतल्यान दुसऱ्या माध्यमांत वचप सहज शक्य जातलें.
- शालेय शिक्षणा मजगतीं भोवभाशी शिक्षणाक लेगीत चालना मेळची, हाचे खातीर जाता तितले यत्न करूंक जाय.

*— भारतीय भासांचें शिक्षण (आधार पत्र) एन.सी.ई.आर.टी.*

*पयली आवृत्ती*

# उपकार

राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाचो भाशा विभाग, एन.सी.ई.आर.टी., नवी दिल्ली; युनिसेफ, पटना; आर.आय.ई. भुवनेश्वर, आर.आय.ई. म्हैसूर; आर. आय.ई., अजमेर; एस.सी.ई.आर.टी., पटना; विद्या भवन सोसायटी, उदयपूर, काशी हिंदू विद्यापीठ, वाराणसी ह्या संस्थांच्या विशय-जाणकारांचें उपकार आठयता.

अनिता रामपाल, प्रोफेसर, शिक्षण विभाग (सी.आय.ई.), दिल्ली विद्यापीठ, दिल्ली; अरुण कमल, प्रोफेसर, पटना विद्यापीठ, पटना; रमाकांत अग्निहोत्री, प्रोफेसर, भाशा विज्ञान विभाग, दिल्ली विद्यापीठ, दिल्ली; रोहित धनकर, संचालक, एस.सी.ई.आर. टी, पटना; प्रियदर्शन, समाचार संचालक, एन.डी.टी.व्ही.इंडिया, नवी दिल्ली; अवधेश प्रधान, प्रोफेसर, हिंदी विभाग, काशी हिंदू विद्यापीठ, वाराणसी; अहमद सज्जाद, माजी प्रोफेसर, रांची विद्यापीठ, रांची; शुभा राव, संयोजक, महिला अध्ययन आनी विकास केंद्र, काशी विद्यापीठ, वाराणसी; रियाज अहमद, उप-कुलपती, विद्याभवन सोसायटी, राजस्थान; प्रेमपाल शर्मा, संयुक्त-सचिव, रेल भवन, रेल मंत्रालय, नवी दिल्ली; सदानंद शाहीर, प्रोफेसर, हिंदी विभाग, काशी हिंदू विद्यापीठ, वाराणसी; ज्ञानदेव मणि त्रिपाठी, प्राचार्य, तपेंदु इन्स्टिटयूट ऑफ हायर स्टडीज; एस. रघुनाथन, माजी शिक्षण सचिव, दिल्ली सरकार; अपूर्वानंद, प्रोफेसर, हिंदी विभाग, दिल्ली विद्यापीठ; राजेश भूषण, सचिव, माहिती आनी प्रसारण मंत्रालय, पटना; शारदा कुमारी, वरिष्ठ प्रवक्ता, एस.सी.ई.आर.टी., नवी दिल्ली; उषा शर्मा, रिडर, आर.आय.ई., अजमेर; नूतन झा, शिक्षिका, मीराम्बिका विद्यालय, नवी दिल्ली; मणिन्द्रनाथ ठाकूर, सहयोगी प्राध्यापक, जे.एन.यू.; प्रो. कृष्ण कुमार, संचालक, एन.सी.ई.आर.टी., नवी दिल्ली; रामजन्म शर्मा, प्रोफेसर आनी मुखेली, भाशा विभाग, एन.सी.ई.आर.टी., नवी दिल्ली; ए. के. मिश्रा, प्रोफेसर, एन.ई.आर.आय.ई., शिलाँग; संध्या सिंह, रिडर, भाशा विभाग, एन.सी.ई.आर.टी., नवी दिल्ली हांचेंय बी मंडळ उपकारी आसा.

उत्तर-प्रदेश, बिहार, झारखंड, उत्तराखंड, गुजरात, मध्यप्रदेश, छत्तीसगड, हरियाणा, महाराष्ट्र, कर्नाटक, राजस्थान तशेंच दिल्ली हांगाचे शिक्षक, शिक्षक-प्रशिक्षक आनी पुस्तक निर्मणेच्या साबार पांवड्यांचेर आदार दिल्ले खातीर रुची सैनी आनी नरेंद्र वर्मा, डी. टी. पी. ऑपरेटर; राधा, कॉपी एडिटर आनी धनंजय सिंह तशेंच उपेंद्र सिंह सत्यार्थी, प्रोजेक्ट-फेलो हांचेय बी मंडळ उपकार आठयता.

*सुदारीत आवृत्ती*

समन्वय घडोवन हाडिल्ले खातीर डॉ. संध्या सिंह, प्रोफेसर आनी अध्यक्ष, भाशा शिक्षण विभाग, एन.सी.ई.आर.टी., अणकारपी प्रो. भूषण  भावे, प्राचार्य, विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालय, पर्वरी गोवा, जितिन कुमार (कनिश्ठ परियोजना सहायक), नीलम कुमारी (कनिश्ठ परियोजना सहायक) आनी अमजद हुसैन (ग्राफिक डिजायनर), कुणाल राजोरिया (ग्राफिक डिजायनर) हांचेंय बी योगदान लाबलां.

# विशय–वळेरी


**मनोगत** (सुदारीत आवृत्ती) iii

पयली आवृत्ती v

**प्रस्तावना** vii

**1 शिक्षणा संबंदांतल्या दस्तावेजांनी भास 1–11**

- शिक्षा आयोगाचो अहवाल : शालेय अभ्यासक्रम – 1964–66
- राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 1968
- राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 1986
- अंमलबजावणेचो उपक्रम – 1992
- राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा – 1988, 2000
- राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा – 2005
- राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020

**2. भास आनी समजणी 12–19**

- भुरग्यांची समज आनी भास
- समजणेच्या आदाराच्या रुपांत भास
- भास आनी समाजीक समताय
- भुरग्यांचे अस्मितायेचो प्रस्न
- सार्थक शिक्षणाचे यत्न

**3. भोवभाशीकताय 20–29**

- भोवभाशिकतायेचो उद्देस
- भुरग्यांची भाशीक क्षमताय
- सार्वभौमी व्याकरणाची परिकल्पना
- भोवभाशीकताय आनी अल्पसंख्य तशेंच आदिवासी भासो
- भोवभाशीकताय आनी दक्षिणी भारतीय भासो
- भोवभाशीकताय आनी इंग्लिशीचो वर्ग
- भोवभाशीक वर्ग
- भोवभाशिकतायेचीं आव्हानां

**4. विशयाच्या केंद्रस्थानार भाशा** **30−44**

- इतिहासाच्या जनेलांतल्यान
- सगल्या विशयांचो शिक्षक मुळावो भाशेचो शिक्षक
- चिंतपाचें स्वातंत्र्य आनी मुळावेपणाचो प्रस्न
- भास आनी हेर विशय
- तंत्रीक उतरावळ आनी भुरग्यांची समजणी
- उच्च शिक्षण आनी हेर विशय

**5. भाशां मदीं संवाद** **45−50**
**(संदर्भः इंग्लीश आनी हिंदी)**

- इंग्लीश आनी हिंदी मदले संबंद
- 1967 उपरांत
- 1987 चो काळखंड
- परिवर्तनाचो नवो काळखंड
- इंग्लिशीच्या विकासाचो इतिहास
- नवीं उतरां घडोवपाची गरज

**6. मुद्दे आनी आव्हानां** **51−58**

- शिक्षकाची सज्जताय
- समाजीक सज्जताय
- प्रशासकी सज्जताय

**परिशिश्ट −1** **59−61**

**संदर्भ** **62−63**

# 1

# शिक्षणा संबंदांतल्या दस्तावेजांनी भास



- **शिक्षा आयोगाचो अहवालः शालेय अभ्यासक्रम–1964-66**
- **राष्ट्रीय शिक्षण धोरण–1968**
- **राष्ट्रीय शिक्षण धोरण–1986**
- **अंमलबजावणेचो उपक्रम–1992**
- **राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा–1988, 2000**
- **राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा–2005**
- **राष्ट्रीय शिक्षण धोरण–2020**

आमकां दोन वोंठ आसात. दोनूय एकमेकांक मेळटात. जिबे वांगडा मेळून एके लयींत घोळटात, तेन्ना भाशा तयार जाता. एक वोंठ हाल्लो आनी दुसरो हाल्लोच ना जाल्यार संवाद शक्य जावचो ना (भाशे संबंदान एका कवीची नदर). 1971 चे लोकमेजणे प्रमाण आमच्या देशांत सुमार 1652 भासो आसात. तांचे मदल्यो फकत 47 भासोच शाळांनी भुरग्याचे समजणेचें माध्यम जावंक पावल्यात (स्रोतः भारतीय भासांचें शिक्षण–2005).

हेर सगल्यो भासो आजून मेरेन हालचाल नाशिल्ल्यान ओग्गी आसात. घडये, हांतूतल्या जायत्या भासांचें अस्तित्वच सोंपतलें. फकत कांय थोड्यो भासो माध्यम जावपाक पावल्यो नात, म्हणून हो मोनेळ पडला काय? काय हो मोनेळ म्हणल्यार साबार संस्कृतायो, कितलेशेच समाज, जायत्यो भासो आनी कोट्यांनी भुरगीं सांसणा खातीर मोनी जावपाची शिटकावणी आसा? हे विशीं चिंतचें पडटलें.

खंयचेय भाशेची उदरगत तिचे वांगडी भाशे वांगडाच जाता, हें आमी जाणा जावचें पडटलें. आतां आमी फकत हिंदीचीच गजाल केली जाल्यार हिंदी भास जायत्यो क्षेत्रीय भासो मेळून तयार जाल्या. सगल्या वांगडी भासां वांगडा चिंवचिंवपी, फुडें पावली मारपी भाशेंत घडिल्ल्या/वाडिल्ल्या भुरग्यांक तांचे आवयभाशेंत आयकूंक मेळूंक जाय. आमच्यो जायत्यो मोन्यो भासो हाची वाट पळयतात, एके अशे कृतीची... जंय दोनूय ओंठ एकमेकांक मेळटले (भुरग्यांची

समजणी आनी भास हांचे मदीं ताळमेळ घडून येतलो) आनी भाशेंत लोकशायेक सुवात मेळटली.

स्वातंत्र्या उपरांतच्या शिक्षणा संबंदीच्या सगल्या दस्तावेजांनी मायभाशेक समजणेच्या माध्यमाच्या रुपांत (खासा करून मुळाव्या शिक्षणांत) लागू करपाची गजाल सांगिल्ली आनी भुरग्यांचे समजणेंत पालव दिवपी तांची आपली भास, तांची स्वतंत्र अभिव्यक्ती हांकां महत्त्व दिल्लें. विंगड विंगड दस्तावेजांनी मांडिल्ल्यो भाशे संबंदीच्यो सुचोवण्यो सकयल दिल्यातः

**शिक्षा आयोगाचो अहवालः शालेय अभासक्रम – 1964–66**

मुळाव्या शिक्षणांत आयज आमकां ज्या आदारभूत प्रस्नाची जाप सोदपाची आसा तो प्रस्न म्हणल्यारः आवयभाशेंत बरे तरेन शिकोवप आनी निरक्षरताय काबार करप. आदल्या काळांत, उद्देगाचे नदरेंतल्यान विकसीत देशांनी लेगीत, प्राथमीक शिक्षणाचो पुराय अभ्यासक्रम फकत एकेच भाशेच्या अध्ययनाचेर आदारीत आसतालो. शिक्षणाची उदरगत जातकीच आनी अर्थीक समृद्धी आयल्या उपरांतच, त्या त्या देसांनी मुळाव्या शिक्षणांत दुसरी भास सुरू केली.

* * *

आमचो विस्वास आसा, इंग्लिशी सारकी विदेशी भाशा शिकचे पयलीं आवयभाशेचेर फावो तितलें प्रभुत्व मेळोवंक जाय. हाचे भायर, उच्च–प्राथमीक वर्गांनी, जंय लाखांनी विद्यार्थी दाखल जातात थंय, इंग्लिशीच्या प्रभावी शिक्षणा खातीर व्हडा संख्येन प्रशिक्षीत शिक्षकांची गरज पडटली; आयज ते उपलब्ध नात. जर ते उपलब्ध जाले जाल्यार लेगीत त्या उपक्रमांक लागून शिक्षणा खातीर राखून दवरिल्ल्या निधीचेर अतिभार पडटलो. आमच्या मतान हो भोवच व्हड वावर आसा आनी आमी ओगीच हाचे फाटल्यान लागले जाल्यार शाळेंतलो इंग्लिशीचो पांवडो वयर वच्च्या वांट्याक सकयल पडटलो. हाका लागून आमची शिफारस आसा, इंग्लिशीचें अध्ययन विदेशी भाशेच्या रुपांत कांय शाळांनी प्रायोगीक तत्वाचेर सुरू करपाचें सोडून, पांचवे यत्ते आदीं सुरू करूंक जायना.

*– शिक्षण आयोगाचो अहवाल, 1964–66, पान 218–219*

## राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 1968

भारतीय भासांचो आनी साहित्याचो विकास तशेंच शिक्षण आनी संस्कृती हांचो विकास एकमेकांचेर अवलंबून आसा. ते बगर लोकांचे सर्जनशील उर्जेचो विकास जावंक पावचोना, शिक्षणाच्या पांवड्यांत सुदार जावचो ना, लोकां मेरेन गिन्यान पावचें ना. तशेंच शिकिल्ले-सवरिल्ले लोक आनी भौस हांचे मदलीं दरी तशीच उरतली; घडये वाडची ना, पूण कमीय जावचीना. हाचे आदींच शिक्षणाच्या माध्यमाच्या रुपांत प्राथमीक आनी माध्यमीक पांवड्यांचेर काय भासांचो वापर चालू आसा. उच्च शिक्षणांत लेगीत तो करपाची गरज आसा.

**हिंदीः** हिंदीच्या विकासा खातीर शक्य ते सगले यत्न करूंक जाय. कलम 357 नदरे मुखार दवरून, संपर्क भाशेच्या रुपांत तशेंच भारताचे सामायीक संस्कृतायेचे अभिव्यक्ती-माध्यमाच्या रुपांत हिंदी भाशेक विकसीत करपाची गरज आसा. गैर-हिंदी वाठारांनी जंय जंय उच्च शिक्षणांत शिक्षणाचें माध्यम हिंदी करपाचे यत्न चल्ल्यात, थंय थंय तांकां उर्बा दिवंक जाय (टीपः सगल्या भारतीय भासांच्या संदर्भांत ही गजाल घडूं येता).

**आंतरराश्ट्रीय भासोः** इंग्लीश आनी हेर आंतरराश्ट्रीय भासांच्या शिक्षणाचेर खाशेलें लक्ष दिवपाची गरज आसा. खासा करून विज्ञान आनी तंत्रज्ञानाच्या मळार संवसाराचें गिन्यान वाडत आसा. भारताक हे उदरगती वांगडा फकत मेळोवन घेवनच वचपाचें ना, जाल्यार ते उदरगतींत म्हत्वाचें योगदान लेगीत दिवपाचें आसा. हे मोखी खातीर इंग्लिशीचें गिन्यान चड प्रमाणांत वाडोवचें पडटलें.

*– राष्ट्रीय शिक्षण धोरण-1968, पान 3-4*

1968 च्या धोरणांत लेगीत त्रिभाशा सुत्राची गजाल भर दिवन सांगिल्ली. राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा (2005) खाला ती अशे तरेन मांडिल्लीः

### त्रिभाशा सुत्र

- पयली भाशा
  - शाळेंत शिकयल्ली एकतर आवयभास आसची वा प्रादेशीक भास.
- दुसरी भाशा
  - हिंदी भाशीक राज्यांनी 'दुसरी भासफखंयचीय हेर अर्विल्ली भास जावची वा इंग्लीश, आनी

- गैर-हिंदी भाशीक राज्यांनी दुसरी भाशा - हिंदी वा इंग्लीश आसची.

- तिसरी भाशाः
  - हिंदी भाशीक राज्यांनी तिसरी भाशा इंग्लीश आसतली वा खंयचीय एक अर्विल्ली भाशा, जी दुसरी भाशा म्हूण घेतिल्ली ना.
  - गैर-हिंदी भाशीक राज्यांनी तिसरी भाशा इंग्लीश आसतली वा खंयचीय एक अर्विल्ली भाशा, जी दुसरी भाशा म्हूण घेतिल्ली ना.

*- भारतीय भासांचें शिक्षण - आदारपत्र, पान 13*

## राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 1986

1968 च्या शिक्षण धोरणानः 1968 च्या शिक्षण धोरणाच्या आदाराचेर भाशा शिक्षण संबंदांतल्या मुद्यांचेर चर्चा केल्या. हें धोरण उच्च-शिक्षणाच्या पांवड्यार लेगीत क्षेत्रीय भाशेकच माध्यम-भाशेच्या रुपांत वापरपाचेर भर दिता; त्रिभाशा सुत्राची अंमलबजावणी काटेकोरपणान जावची; शिक्षणांत दरेका पांवड्यार भुरग्यांचे भाशीक उदरगतीचेर लक्ष दिवंक जाय. इंग्लीश आनी हेर विदेशी भासो शिकोवपाचे सुविधेची खात्री करूंक जाय; संविधानाचें कलम 351 भितर नमूद केल्ले प्रमाण संपर्क भाशेच्या रुपांत हिंदी भाशेक विकसीत करूंक जाय. एके भाशेंतल्यान दुसरे भाशेंत पुस्तकांचे अणकार आनी द्विभाशी आनी भोवभाशी शब्दकोशांचेर गंभीरतायेन विचार करपाची गरज आसा.

*- अंमलबजावणेचो उपक्रम - 1992, पान 94.*

1986 च्या धोरण अंमलबजावणेच्या सुचोवण्यांनी भारतीय भासांच्या विकासा कडेन संबंदीत कांय म्हत्वपूर्ण सुचोवण्यो केल्यात.

- आधुनीक भारतीय भासांनी पाठ्यसामुग्री/संदर्भ पुस्तकां तयार करून उजवाडावचीं;
- विद्यापिठांतल्या प्राध्यापकांचें उद्‌बोधन करचें;
- पाठ्यपुस्तकां आनी संदर्भ पुस्तकांचे इंग्लिशींतल्यान भारतीय भासांनी अणकार करचे. चालू आशिल्ल्या दरेका वावराची सेगीत निरखणी (मॉनिटरींग) जावची.

समजिकायेच्या माध्यमाचे नदरेनय बी ह्यो सुचोवण्यो मानून घेवप समा थरतलें.

## पटनायक – 1986 (अ)

- शालेय शिक्षणाच्या माध्यमीक वा उच्च-शिक्षणाच्या पांवड्याचेर शिक्षणाचें

माध्यम ल्हवू-ल्हवू प्रादेशीक भास वा राज्य पांवड्या वयली भास वा हिंदी वा इंग्लीश जावं येता.

- आमच्या मतान प्राथमीक शिक्षण म्हणल्यार मुखेलपणान भाशा शिक्षण आसा, देखून आवयभास वा क्षेत्रीय भास लेगीत अनिवार्य विशयांच्या रुपांत शिकोवपाक जाय.
- भासो शिकपाची एक अमर्याद क्षमताय खासा करून उणे पिरायेचेर, दरेका मनशा कडेन आसता. जर फावो त्यो सुविधा उपलब्ध आसत जाल्यार इंग्लीश लेगीत प्राथमीक पांवड्याचेर शिकोवं येता. पूण फकत कांय वर्सां इंग्लीश शिक्षणाचेर भर दिवन, अपेक्षीत परिणाम साध्य जावंक पावचे नात. सामान्य मताच्या आड, भासो एकमेकां वांगडाच उदरगतीक पावतात.
- त्रिभाशा सुत्रांत उण्यांत उण्यो तीन भासो आसतात, हें जाहीर आसा. पूण ही ह्या सुत्राची निमणी वयली मर्यादा न्हय. संस्कृत भाशेक आधुनीक भाशेच्या रुपांत शिकोवंक जाय. अश्या वेळार तिचें स्वरूप शास्त्रीय संस्कृत भाशे परस जायतें वेगळें आसतलें.
- शास्त्रीय (अभिजात) आनी विदेशी भासो आपले-आपले तरेन शिकूंक जाय. ताका लागून व्याकरणीक आडखळी समजून घेवपाची संद तर मेळटाच त्याभायर आमच्या आंवाठा भायल्यो परंपरा, संस्कृतायो आनी लोकां मेरेन पावूंक आदार जाता.

*– भारतीय भासांचें शिक्षण – आधार पत्र, पान 16*

## अंमलबजावणेचो उपक्रम – 1992

## वेव्हारीक त्रिभाशा सुत्राचो आदार

वेव्हारीक प्रादेशीक भाशा सुत्राचे निर्मणेंत सकयल्ल्या मार्गदर्शक सिद्धांतांची मदत मेळूं येता –

- जो मेरेन इंग्लीश भाशा विद्यापिठीय पांवड्यार शिक्षणाचें मुखेल माध्यम तशेंच केंद्र आनी साबार राज्यांनी प्रशासनाची भाशा उरतली, तो मेरेन तिका उंचेली सुवात मेळतच रावतली. विद्यापिठांनी प्रादेशीक भासांक उच्च-शिक्षणाचें माध्यम करतकीच लेगीत सगल्या विद्यार्थ्यांक इंग्लिशीचें वेव्हारीक गिन्यान

भोवच उपेगी थरतलें आनी विद्यापिठांत प्रवेश घेतल्यांक इंग्लिशींचें बरें गिन्यान आसप गरजेचें जातलें.

- शाळेंत एखादरे भाशेच्या अध्ययनांत कितली योग्यताय प्राप्त करूं येता? ह्या प्रस्नाची जाप भुरगें कितल्या वर्सां सावन ती भास शिकता, हाचेर भुरगें अवलंबून आसना. जाल्यार, विद्यार्थ्यां भितर कसली उर्बा (प्रेरणा) आसा, खंयच्या पांवड्यार भास शिकता, उपलब्ध शिक्षक आनी दिश्टीकोन तशेंच शिक्षण पद्दती खंयचे तरेची आसा, हांचेर अलवंबून आसता. फावो त्यो सुविधा नासत जाल्यार खूब काळ मेरेन भास शिकोवन लेगीत बरें फळ मेळचें ना. उरफाटें परिस्थिती जर अनुकूल आसत जाल्यार थोड्या काळांत लेगीत चड लाब मेळूं येतात. खूब उणे पिरायेचेर भुरग्यांक दुसरी भास शिकोवपाचें समर्थन करूं येता. पूण आमच्या मतान प्राथमीक शाळांनी लाखांनी विद्यार्थ्यांक भाशा शिक्षण दिवपा खातीर योग्य शिक्षकांची वेवस्था करप भोवच कठीण जातलें.
- हिंदी वा इंग्लीश भास दुसरी भाशा म्हूण अनिवार्य रुपांत खंयच्या पांवड्या सावन लागू करची आनी ती कितलो काळ मेरेन शिकोवची, हें थळावी अंतःप्रेरणा आनी गरज हांचेर अवलंबून आसतलें आनी तें दरेका राज्याचे विवेकशक्तीचेर सोडून दिवपाक जाय.
- खंयच्याच पांवड्यार चार भासांचें अध्ययन सक्तीचें जावंक फावना. पूण स्वेच्छेन चार वा चड भासांच्या अध्ययनाच्यो सुविधा लेगीत उपलब्ध आसूंक जाय.

*– अंमलबजावणेचो उपक्रम कार्यावळ 1992*

## राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा – 1988, 2000

1988 आनी 2000 च्या राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाच्या रूपरेखांनी 'शालेय शिक्षणा मजगतीं सगल्या पांवड्यांचेर वा उण्यांत उणें सुरवेच्या पांवड्याचेर शिक्षणाचें माध्यम आवयभास वा क्षेत्रीय भास आसूंक जाय' असो प्रस्ताव मांडला (एन. सी.एफ.एस.ई.–2000). पूण तें करतना आवयभास आनी प्रादेशीक भास हांचे मदल्या भेदाचे गंभीर समस्ये कडेन आडनदर केल्या. हे रुपरेखेंत म्हणलां, जर क्षेत्रीय भास विद्यार्थ्यांची आवयभास नासत जाल्यार ताचें पयल्या दोन वर्सां मेरेनचें शिक्षण आवयभाशेच्या माध्यमांतल्यान जावं येता. तिसरी यत्ता आनी ताचे उपरांत

'क्षेत्रीय भाशेक माध्यम-भाशेच्या रुपांत आपणावंक येता' (एन.सी.एफ.एस.ई.-2000)

*- भारतीय भासांचें शिक्षण - आदार पत्र, पान 15-16*

## राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा - 2005

आयज आमकां शॅर्त खबर आसा, द्विभाशिकतायेक वा भोवभाशिकतायेक लागून संज्ञानात्मक लाब जातात. त्रिभाशा फॉर्म्युला भारताचे भाशा-स्थितीचीं आव्हानां आनी संदी हांकां सामकारावपाचो एक यत्न आसा. ही एक रणनिती जावन आसा, जिका साबार भासो शिकपाचो मार्ग प्रशस्त करपाचो आसा. कार्य आनी भाव, दोनूय रुपांनी ती आपणावपाची गरज आसा. हाचो मुळावो उद्देस भारतांत भोवभाशीकताय आनी राष्ट्रीय सद्भाव हांचो प्रसार करप, हो आसा. सकयल्ल्यो मार्गदर्शक सुचोवण्यो ह्यो मोखी गांठपाचे नदरेन आदारभूत जावं येतात -

- भास-शिक्षण भोवभाशीक जावंक जाय; फकत साबार भासांच्या शिक्षणाच्या अर्थान न्हय तर रणनिती तयार करपाच्या उद्देसान लेगीत, जाका लागून भोवभाशीक वर्गाचो एका संसाधना प्रमाण उपेग करूंक मेळटलो.
- जशे परीं ३.१ भितर नमूद केलां ते प्रमाण भुरग्यांची घरावी भास (भासो), शाळेंतलें शिक्षणाचें माध्यम आसूंक जाय.
- जर शाळेंत उंचेल्या पांवड्या वयलें शिक्षण भुरग्यांचे घरावे भाशेंत (भासांनी) दिवपाची सुविधा नासत जाल्यार मुळाव्या पांवड्या वयलें शिक्षण घरावे भाशेच्या माध्यमांतल्यान दिवपाक जाय. भुरग्यांच्या घराव्या भासांक भोवमान दिवंक जाय. हेंय बी गरजेचें. आमच्या संविधानाच्या कलम ३५०-क प्रमाण दरेक राज्य आनी थंयचो दरेकलो थळावो अधिकारी, भाशीक अल्पसंख्याक गटांतल्या भुरग्यां खातीर प्राथमीक पांवड्याचेर आवयभाशेंत शिक्षणाच्यो फावो तितल्यो सुविधा निर्माण करपाचो यत्न करतलो?

*- राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा - 2005, पान 42*

हाका लागून राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा (2005) खातीर निर्मीत फोकस समूहान 'भारतीय भासांचें शिक्षणफ हांतूत अशी सुचोवणी केल्या - शालेय पांवड्याचेर खासा करून प्राथमीक पांवड्या वयल्या शिक्षणांत शिकोवणेचें माध्यम आवयभासच आसूंक जाय. 1980 वर्सा एन.सी.ई.आर.टी.चे भाशेच्या अध्ययना

खातीर स्थापीत समितीन सुचोवणी केल्ली, सुरवेच्या शिक्षणांत माध्यमांच्या रुपांत आवयभाशेचोच वापर जावंक जाय. भारतीय संदर्भांत हें भोवच गरजेचें जाता, हाचें कारण –

- ती (आवयभास) लोकांक राष्ट्रीय पुनर्निमाणांत भागीदार जावपाक लायक करता.
- फकत कांय धवाडग्यांच्या चपक्यांतल्यान भाशेक मुक्त करता.
- ती परस्पर सहयोगी आनी परस्परावलंबी समाजाचे निर्मणेंत आदार करता.
- चडांत चड लोकांक आपलें मत मांडपाची संद दिता आनी ताका लागून लोकशायेची चड बरी राखण करूंक ती आदार दिता.
- ती माहितीच्या विकेंद्रीकरणाची वाट मेकळी करता आनी नियंत्रीत मिडियाच्या वांट्यांत स्वतंत्र मिडियाच्या विकासांत आपलें योगदान दिता. तेच वांगडा ती चडांत चड लोकांक शिक्षण आनी व्यक्तिमत्व विकासा खातीर लेगीत संदी निर्माण करता.

*– भारतीय भासांचें शिक्षण, शिक्षण आदार पत्र – पान 14–15.*

## राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020

- भुरगीं आपले घरचे भाशेंत/आवयभाशेंत संकल्पना चड बेगीन शिकतात आनी समजून घेतात, हें सगल्यांक खबर आसा. घरांतली भाशा म्हणल्यार सामान्यपणान आवयभास वा थळाव्या समाजान उलयल्ली भाशा. पूण खूबश्या फावटी भोवभाशी कुटुंबांनी कुटुंबांतल्या हेर वांगड्यांनी उलयल्ली एक घरांतली भास आसूं येता, जी केन्ना–केन्ना आवयभाशे परस वा थळावे भाशे परस वेगळी आसूं येता. शक्य जाता थंय, उण्यांत उणें ५ वे यत्ते मेरेन आनी चड बरें ८ वे यत्ते मेरेन आनी ताचे फुडें लेगीत, शिक्षणाचें माध्यम घरांतली भाशा/आवयभास/थळावी भास/क्षेत्रीय भास आसचें. ताचे उपरांत घरावी/थळावी भास जंय शक्य जाता थंय भाशेच्या रुपांत शिकयत रावंक जाय. भौशीक आनी खाजगी दोनूय तरांच्यो शाळा हे गजालीक पाळो दितल्यो.

*– राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020, क्र. 4.11*

- जे प्रमाण संशोधनांतल्यान स्पश्टपणान दिश्टी पडलां, २–८ वर्सांचे पिराये मजगतीं भुरगीं भोवच बेगीन भाशा शिकतात आनी भोवभाशिकतायेचो हे

पिरायेचेर विद्यार्थ्यांक जाणविकायेचे नदरेन लाब जाता. फावंडेशन स्टेजीची सुरवात आनी तिचे उपरांतच भुरग्यांक साबार भाशांचें (पूण आवयभाशेचेर खाशेलो भर दिवन) एक्स्पोजर दिवंक जाय. सगल्यो भासो एके मनोरंजक आनी संवादात्मक शैलींत शिकयतले, जातूंत जायती संवादात्मक भासाभास आसतली आनी सुरवेच्या वर्सांनी वाचप आनी मागीर आवयभाशेंत बरोवपा वांगडाच, यत्ता ३ आनी मुखा वयल्या यत्तांनी हेर भाशांनी वाचूंक आनी बरोवपा खातीरची कळाशी विकसीत करतले.

*– राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020, क्र. 4.12*

- ह्या संबंदांत, विज्ञान आनी गणिताची उंचेल्या दर्जाचीं द्विभाशी पाठ्यपुस्तकां आनी शिक्षण–अध्ययन सामुग्री तयार करपाचे सगले तरेचे यत्न करतले, जांकां लागून विद्यार्थी ह्या दोनूय विशयांचेर चिंतपाक आनी उलोवपाक आपल्या घरांतली भाशा/आवयभास आनी इंग्लीश दोनांतूय सक्षम जावंक पावतले.

*– राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020, क्र. 4.14*

- भारतीय भासांचें शिक्षण आनी अभ्यासक्रम हांकां शाळा आनी उंचेलें शिक्षण हांचे मदगतीच्या दरेका पांवड्यार एकीकृत करपाची गरज आसा. भासो संबंद्ध आनी जित्योजिव्यो उरच्यो हाचे खातीर ह्या भासांनी उंचेल्या दर्जाच्या अध्ययन आनी प्रिंट सामुग्री/मजकुराचो सेगीत प्रवाह चालू उरपाक जाय, जातूंत पाठ्य–पुस्तकां, सराव–पुस्तकां, व्हिडियो, नाटकां, कविता, कादंबऱ्यो, नेमाळीं हांचो आसपाव जाता. भासांचे शब्दकोश आनी उतरांच्यो कोठयो चडांतचड रुपांत सेगीत अपडेट/अद्यतन जायत रावपाक जाय आनी तांचो व्यापक प्रसार लेगीत करूंक जाय, ताका लागून चालंत मुद्दे आनी संकल्पनांचेर ह्या भासांनी चर्चा घडून येवंक जाय. संवसारभरांतल्या देशां वरवी – इंग्लीश, फ्रेंच, जर्मन, हिब्रू, कोरियाई, जपानी आदी भासांनी हे तरेची अध्ययन सामुग्री, प्रिंट सामुग्री तयार करतात आनी संवसारांतल्या हेर भासांतल्या महत्त्वपुराय सामुग्रीचो अणकार करतात. तशेंच शब्दभांडार परतून परतून अपडेट करतात. पूण आमच्यो भासो जित्यो आनी कालसंबंद्ध दवरपाचे नदरेन आदार करपा खातीर अशे तरेची अध्ययन समुग्री, प्रिंट सामुग्री आनी शब्दकोश तयार करपाचे बाबतींत भारताची गती साप्प उणी आसा.

*– राष्ट्रीय शिक्षण धोरण – 2020, क्र. 22.6*

- भारतीय भासांचें संवर्धन आनी प्रसार तेन्नाच शक्य आसा, जेन्ना तांचो नियमीतपणान वापर जाता आनी तांचो शिक्षण-अध्ययना खातीर उपयोग जाता. भारतीय भासांनी विंगड विंगड पांवड्यांचेर कविता आनी गद्य लेखना खातीर पुरस्कार स्थापन करपा सारकीं पावलां उबारतले, जांकां लागून सगल्या भारतीय भासांनी ताज्यो-टवटवीत कविता, कादंबऱ्यो, पाठ्य-पुस्तकां, बिगर-कथनात्मक साहित्य हांची निर्मणी तशेंच पत्रकारिते भशेन हेर उपक्रमांची निश्चिती करूंक मेळटली. भारतीय भासांनी प्राविण्याक रोजगार-प्राधान्यतायेच्या मानदंडांचो एक वांटो कसो आसपावन घेतले.

*– राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020, मानव संसाधन विकास मंत्रालय.*

दस्तावेज आनी संशोधनांतल्यो ह्यो साबार सुचोवण्यो आसून लेगीत आयज लागीं लागीं 75 वर्सां उपरांत लेगीत हें शक्य जावंक पावलें ना. एन.सी.ई.आर.टी. न भारतीय भासां संदर्भांत केल्ल्या दोन संशोधनांनी (पळयात पान 51-54) लेगीत माध्यम भासांची जी राज्यवार रूपरेखा मांडल्यात, तांतूत चडश्या राज्यांनी खूब भासो माध्यम-भाशेच्या रुपांत वापरांत आसात. **कागदाचेर तरी माध्यम-भासांची ही सद्यस्थिती आनी रूपरेखा उमेद वाडोवपी आसा, पूण घरांतली भास आनी शाळेंतली भास हांचें मदलें अंतर आमी आजून उणें करूंक शकले नात.** दिसानदीस एके वटेन घरांतली भास आनी स्कुलांतली भास हांचे मदलें अंतर वाडत गेलें आनी दुसरे वटेन इंग्लिशी वांगडा भारतीय भासांचे संवाद लेगीत तुटलो. मानसीक चेंपण इतल्या प्रमाणांत वाडलें की भुरग्यांची स्वताची समज, स्वताची अभिव्यक्ती भितरले भितर चेंपून उरली. हाकाच लागून राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाचे रुपरेखेंत (2005) हीच गजाल नेट दिवन परतून सांगची पडली, भुरग्यांची घरांतली भास शाळेंत लेगीत जर ताचे समजणेचें माध्यम जाली, जाल्यार फकत घोकंपट्टेच्या वांट्याक भुरगीं समजून घेवन शिकपाच्या मार्गार वचूंक पावतलीं. शिक्षण तांचे खातीर वजें जायनासतना एक खोशी दिवपी अणभव जातलो. हांतूतय कांय दुबाव आनी जायत्यो आडखळी आसत, हें खरें.

ह्योच गजाली मतींत घेवन एन.सी.ई.आर.टी.च्या भाशा विभागान एक पावल उबारलें आनी देशभरांतले शिक्षण तज्ञ आनी शिक्षकां वांगडा मेळून चर्चा केली. ही चर्चा पटना, वाराणसी, उदयपूर आनी दिल्ली हांगा परिसंवादाचे मालिकेंतल्यान घडोवन हाडली, जांतूत भुरग्यांची स्वताची भासच तांचे समजणेचें माध्यम जावचें,

हे गजालीचेर एकमत जालें. पूण सगल्यांत व्हड प्रस्न तिचे अंमलबजावणेचो आसा. ह्या परिसंवादांनी एकवटीतपणान एक गजालय मुखार आयली, ती म्हणल्यार ते दिखेन एके व्यापक तयारेची गरज लागली. फकत ॲकॅडेमीक न्हय तर समाजीक आनी प्रशासकी भुमिका घेवन एक सुसज्ज तयारी करची पडटली आनी समजणेच्या माध्यमा विशीं समजिकाय तयार करूंक एक कृती येवजण तयार करची पडटली.

* * *

# 2

# भास आनी समजणी

- ➤ **भुरग्यांची समज आनी भास**
- ➤ **समजणेच्या आदाराच्या रुपांत भास**
- ➤ **भास आनी समाजीक समताय**
- ➤ **भुरग्यांचे अस्मितायेचो प्रस्न**
- ➤ **सार्थक शिक्षणाचे यत्न**



भाशेचें आनी समजणेचें नातें खूब घनिश्ट आसता. पूण शिक्षणांत समजणेची गरज लागी लागी न्हयकारल्या. फाटल्या वर्सां शिक्षणा संबंदांतलीं जीं नवीं धोरणां घोशीत जालीं, तांतूत पयले फावट शिक्षणांत समजणेचेर भर दिवपाची गजाल केल्या. हाचे आदीं समजणी म्हणल्यार कितें? हाचीय बी समजणी जावंक नाशिल्ली. ज्ञानदानाची आनी तें आत्मसात करपाची परंपरा चालू आशिल्ली. आयजय ती चडश्या प्रमाणांत चालू आसा. सगल्यांत पयलीं, भुरग्यांची भाशा खंयची? ह्या विशयांत आमकां आमची समजणी पक्की करची पडटली.

## भुरग्यांची समज आनी भास

शाळेंत येवच्या पयलीं भुरगीं भाशेच्या माध्यमांतल्यानच संवसाराचो अणभव घेतात;

- भुरगीं भाशा शिकनात, मनांत तिची रचणूक करतात.
- भुरग्यां कडेन समजणेची तांक आसता आनी तीं आपूण जावन समज घडयतात लेगीत.
- भुरग्यां भोंवतणी साबार भासो आसप ही समस्या न्हय तर तें एक संसाधन जावन आसा. खूब भासो शिक्षणांत समानताय हाडपाचें काम करूंक शकतात.
- अभ्यासक्रम आनी भास जेन्ना वैयक्तीक जिणे कडेन जोडटा, तेन्ना ती चड समृद्ध जाता.
- स वर्सांचे चलयेची भाशा लेगीत भोवच जटील आंसू येता. ताचे लागीं भाशेचें अशें व्याकरण आसता, जातूंत ती सगल्यो गजाली उकतावंक शकता. जर ताचेर माध्यमाच्या नांवान दुसरी हेर भाशा लादली जाल्यार ताची समजणी सशक्त जावची ना.

*चॉम्स्की (1959)ची 'रिव्यू ऑफ स्किनर्स व्हर्बल बिहेवियर' ही संकल्पना ते संकल्पनेन वेव्हारवादाची बुन्यादच हालोवन उडयली. चॉम्स्कीन तार्कीक मांडणी करून सांगलें, भाशीक क्षमताय जल्मजात आसता. तशें नाशिल्लें जाल्यार भाशीक वेवस्था शिकपाची प्रक्रिया शक्यच जावची नाशिल्ली. पूण पियाजे (1962-1983), इनहेल्डर आनी पियाजे (1958) आनी व्योगोत्स्की (1978, 1986) ह्या सारक्या मनोविज्ञानिकांनी ह्या दोनूय अतिवादी दिश्टिकोनांच्या मदलो मार्ग सोदलो. जंय वेव्हारवादी जाणकार तकली म्हणल्यार एक 'कोरी पाटी' कशी मानताले, थंय (चॉम्स्की सारके) संज्ञानात्मक पक्ष मांडपी जाणकार मानवी तकलेंत भाशा पयलीं साकुनूच विद्यमान आसता, व्याकरणांत स्वतंत्रपणान गुंथिल्ली आसता, अशें मानताले. पियाजाच्या मतान भाशा हेर संज्ञानात्मक तंत्रा प्रमाण आपल्या परिवेशा सयत आंतरक्रियेच्या माध्यमांतल्यानच विकसीत जाता.*

*– भारतीय भासांचें शिक्षण – आधार पत्र, पान 8*

## समजणेच्या आदाराच्या रुपांत भास

समजणी आनी भाशा हांचें नातें, हवा आनी तिच्या ल्हारांच्या-तरंगांच्या नात्या भशेन आसता. आमची समज आमचे भाशेंतच घडटा. भाशे बगर समजणेची संकल्पनाच अशक्य आसा. पूण शाळांनी भाशेचो वापर एक 'टूल' (उपकरण) कसो जाता. आमकां हे नदरेन आतांच वावर करचो पडटलो आनी भाशा म्हणल्यार मानवी समजणेचो एकमेव गरजेचो आदार, हो विस्वास निर्माण करचो पडटलो.

आमी सद्या वर्तमानांत कितें करतात? हाचे विशीं लेगीत भाशा आमकां शिटकायता. वर्तमानांतल्यान भुतकाळांत आनी भविश्यांत यो-वच करपाचें एकमेव गरजेचें उपकरण म्हणल्यार भाशा. काल कितें आशिल्लें? हाच्या आदारानच मुखार आमकां आनीक कितें जाय, ताची कल्पना आमी करूंक शकतात. आपल्या विशयांत विवेकबुद्दीन निर्णय करपाचें काम भाशाच करता. मनशाच्यो ह्यो सगल्यो अवस्था आपल्या परिवेशांतच घडटात आनी हें घडणावळीचें काम समजणे वरवीच शक्य आसा. मनश्याची ही समजणी भाशेक लागूनच घडटा. भाशेंतल्यानच आमी अर्थपुराय संकल्पना निर्माण करतात, संबंदाचें जाळें तयार करतात, आमच्या अणभवांक सार्थकताय प्रदान करतात. आमची उद्दिश्टां पळोवंक शकतात आनी हेरांचीं उद्दिश्टां समजूंक शकतात. अशे तरेन मनीस घडोवपाच्या गरजेच्या अटीच्या रुपांत भाशा समजणेचें माध्यम जाता.

भुरग्यांच्या मनांत स्वताचे भाशेची रचणूक पयलीं साकून आसता. संकल्पनांचें

स्वरूप हेच भाशेंतल्यान निर्माण जाता. जेन्ना भुरगें खंयचीय नवी वस्त पळयता, तेन्ना तें ताचो संबंद पयलींच्या अणभवा कडेन जोडटा आनी नवीं खाशेलपणां जाणून घेता आनी मागीर ते वस्तुची संकल्पना तयार जाता. जेन्ना भुरगें आनीक मातशें व्हड जाता तेन्ना आपूण जाणा आशिल्ल्या वस्तूं वयल्यान तें आपणाक खबर नाशिल्ल्या वस्तूंक वळखता आनी तांचे विशीं उलोवंक शकता. हें भाशे वरवीच शक्य आसा. हाका लागून भुरग्यांक तांच्या मनांत पयलींच आशिल्ल्यो आनी नव्यो संकल्पना वेगळ्या वेगळ्या परिस्थितींत वापरपाची संद दिवची पडटली. तशें जालें जाल्यार ताची स्वताची समजणी घडटली.

*एक चली उडट्या मोराक पळोवन म्हणटा,'कांऽकां' आनी चलतल्या मोराक पळोवन म्हणटा, ङ्भौं भौंफ़ हांतूत देड वर्सांचे चलयेची संकल्पना विकसीत जायत आसा. म्हणल्यार ताचे नदरेन उडपी 'पक्षी' आसा आनी चलपी 'मोनजात' आसा. स म्हयन्या उपरांत तें चली वण्टीचेर चलपी पालीक पळोवन 'पल्ली' म्हणटा आनी आवय जेन्ना पालीक 'कांऽकां' म्हणटा तेन्ना तें अजापीत जाता. आता फरक चड स्पश्ट जाला. ती ताची शिकपाची आनी समजणी घडोवपाची पद्दत आसा. एखादरे वस्तूक पळोवन भुरगीं सामान्यतायेन विचारतात, ''हें कितें?'' तेन्ना तीं उतर/शब्द विचारनात जाल्यार संकल्पना विचारतात. जे भाशेंत भुरग्यान पयले फावट उलोवपाक सुरवात केली, तिच्याच आदारान तें समजणी तयार करता, अर्थ काडटा. तो अर्थ ताचे खातीर म्हत्वाचो आसता, हें आमी समजप गरजेचें आसता.*

*– एक वांटेकार*

### भास आनी समाजीक समताय

समाजीक जीण, भाशा आनी मनीस भोवच घनिश्ट रुपान एकमेकांक जोडिल्ले आसतात आनी सर्जनशिलतायेंत तांची व्हड भुमिका आसता. भुरगें आपल्या अणभवांक भाशेच्या माध्यमान सजोवन तांकां अर्थपुराय करता. ही प्रक्रिया खंयचे तरी भाशे वरवीच जाता आनी ही भाशा म्हणल्यार भुरग्यांची घरांतली भाशाच/आवयभासच आसता. हाचोच अर्थ, सर्जनतायेचो पयलो यत्न आपले भाशेंतच सुरू जाता. हाचें कारण जीं भावात्मक आनी आंतरीक उतरां आसतात तीं आपले भाशेंतल्यानच येतात.

भुरगें जेन्ना पयले फावट शाळेंत येता, तेन्ना ताणें आपले भाशेंत उलोवप ना,

अशें ताका शिकयतात. ताका अशे एके भाशेंत उलोवचें पडटा, जी शिक्षकांनी निर्धारीत केल्ली आसता. ती अशी भाशा आसता, जांतूत ना केन्ना ताणें चिंतिल्लें आसता ना उलयल्लें आसता. हाचो परिणाम भोवच खतरनाक जावं येता. आमी मतींत दवरूंक जाय, भुरगें आपले आवयभाशेंतच सर्जन करता आनी आपल्या अणभवांची व्याख्या लेगीत तेच भाशेंत करता. शिक्षणांत हें न्हयकारप म्हणल्यार फकत भुरग्यांक न्हयकारप न्हय तर तो समाजीक समताय, समाजीक न्याय आनी स्वातंत्र्याक लेगीत दिल्लो न्हयकार. ही प्रवृत्ती 'मोनेळ संस्कृताये' वांगडाच एका आक्रमक समाजाक जल्म दिवंक शकता. हाचें कारण, जेन्ना उतरांच्या माध्यमांतल्यान अभिव्यक्ती जायना, तेन्ना ती हेर साबार मार्गां वरवी जावं येता, जे अनुपयुक्त लेगीत आसूं येतात. सहिश्णुतायेची भावना हाडपाचे नदरेन लेगीत भुरग्यांक आपले भाशेंत चिंतपाच्यो, विचार करपाच्यो तशेंच वाचपा-बरोवपाच्यो संदी दिवच्यो पडटल्यो. गांधीजीन आयच्यान सुमार शंबर वर्सां फाटी (1909 वर्सा) 'हिंद स्वराज' आपले आवयभाशेंत - गुजरातींत उजवाडायलें, इंग्लिशींत न्हय, तें बेश्टेंच न्हय.

आमची शिक्षण पद्दत कांय लोकांची भास आपणायता जाल्यार कांय लोकांची भास न्हयकारता. हो न्हयकार म्हणल्यार शिक्षण घेवपाच्या वा गिन्यान प्राप्त करपाच्या एकमेव साधनाक दिल्लो न्हयकार. आमकां हांचे विशींय बी चिंतचें पडटलें, नवीं यंत्रां तयार करप, नवे सोद लावप, आपले विशीं आनी आपल्या समाजा विशीं नवे नदरेन चिंतप आमकां तेन्नाच शक्य जातलें, जेन्ना दरेके शाळेचें भाशा शिक्षण लवचीक जातलें.

## भुरग्यांचे अस्मितायेचो प्रस्न

दोन अश्या शाळांचो विचार करात, जांचें आपापलें भाशा-धोरण आसा. एक शाळा अशी जंय भुरगें शाळेंत येता तेन्ना ताचे स्वताचे भाशेक, मागीर ती आदिवासी भाशा आसूं वा ताच्या घरांतली भाशा आसूं, तिका सहजतायेन आनी पुराय भोवमानान वर्गांत स्विकारतात. तें भुरगें आपले भाशेंत जे तरेन उलयता, ते तरेक कोणूच चूक म्हणना आनी भुरग्यांक कोण 'गांवठी'य म्हणना. आपले भाशेंत तें भुरगें आपल्या बापायक वा आज्याक वा पिरायेन व्हडल्या हेर खंयच्याय मनशाक ङ्तूंफ म्हणटा. इतलेंच न्हय शिक्षकांक लेगीत 'तूं' म्हणटा. तेन्ना ताका

कोणूच अपमानीत करिनात, ताका 'गांवठी' म्हणून तिडायनात. ही शाळा त्या भुरग्याक ल्हवू ल्हवू एका बृहत् (व्यापक) संवसाराक आनी गिन्यानाक जोडपाचे नदरेन प्रादेशीक भाशे मेरेन व्हरपाचो यत्न करता. हें काम ताचो आत्मगौरव आनी आत्मविस्वासाक वेंर वचपाक दिनासतना सवकासायेन चलता. हे शाळेंत भुरग्याच्या पूर्व-अर्जीत गिन्यानाचें स्वागत जाता. हांगा भुरगें आवय भाशेंतल्यान प्रांतीय/प्रादेशीक भाशेंत सहजतायेन संक्रमण करता.

थंय दुसरी शाळा आसा, जंय भुरग्याच्या प्रवेशा सावन ताचें शिक्षण एके परकी भाशेंत सुरू जाता. थंय ताची घरची भास तोंडांतल्यान भायर सरले बराबर ताका 'गांवठी' म्हणटात. ही शाळा भुरग्याचे आपले भाशेचो स्विकार करिना. आमी जर ह्या दोनूय शाळांचो हिशेब केलो जाल्यार, पयले शाळेंतल्यान भायर सरपी भुरगो आत्मविस्वासान भरिल्लो आसतलो. आपल्या मुळां कडेन जोडिल्ल्या ह्या भुरग्याच्या मनांत आपले भाशे प्रतीं खंयचीच दुराय वा हीण भावना आसची ना. हो भुरगो प्रांतीय/क्षेत्रीय वा इंग्लीश भाशेचेर लेगीत फावो तें प्रभुत्व मेळोवंक शकतलो. पूण दुसरे शाळेंतल्यान भायर सरिल्लें भुरगें, ताचे भाशेक थंय न्हयकार मेळिल्ल्यान ताचो आत्मविस्वास उणो जावन आनी परकी भाशेच्या फेऱ्यांत सांपडिल्ल्यान ताचें लक्ष अभिव्यक्तीच्या वांट्याक, ते परकी भाशेचें समा उच्चारण आनी व्याकरण हांचेर उरतलें. फुडें वचून विचाराचें तारतम्य सोडून तें भुरगें भास सुदारपाच्याच फाटल्यान उरतलें.

भुरगीं आपले आशीकुशीचें वातावरण आनी पुराय भोंवतण समजून आपली परिपूर्ण अस्मिता घेवन शाळेंत येतात. शाळेंत भुरग्याचे घरांतले भाशेक भायरायतात. हाचो अर्थ त्या भुरग्यान जे भाशेंत आपणाक घडयला, ते भाशेकच भायरायिल्ले भशेन. भुरग्यान जे भाशेंत आपली अस्मिताय रचल्या, जिचे वरवीं ताणें संवसारा विशीं समजणी घडयल्या, ती भायरावप म्हणल्यार फकत आवयभाशेक भायरावप न्हय जाल्यार भुरग्याचे समजणेचो आदारच भायरायिल्ले भशेन जाता. हाकाच लागून आमकां भुरग्याचे भाशेचो स्विकार करचो पडटलो. ताचे भाशेच्यो मर्यादाय बी आसतल्यो, पूण आमकां तांचे सकट ती स्विकारची पडटली. सुरवातीच्या काळांत ताका ताचे भाशेंत शिकपाची (समजुपाची) संद दिवंक जाय. ल्हवू-ल्हवू करून

*दुमका वाठारांत साक्षरताय अभियाना खाला हिंदींत एक पाठ्यपुस्तक (जाणट्यां खातीर) रचिल्लें. पुस्तक खूब बरें आशिल्लें. पूण तांतूतल्यान खंयचेच तरेची समजणी तयार जाय नाशिल्ली. मागीर थळाव्या लोकांच्या आदारान नवी वाचन सामुग्री तयार केली आनी ती भोवच लोकप्रिय जाली. तें पुस्तक संथाली भाशेंत तयार केल्लें. कांय जाणांनी म्हणलें, ''सुरवेच्या काळांत हें चलत, पूण उपरांत मात तांकां कार्यालयीन भाशेंत व्हरप गरजेचें जातलें.''*
*ह्या अणभवाचो उपेग भाशेच्या शिक्षणांत लेगीत करूंक जाय. समजणी निर्माण करूंक तांची स्वताची भाशा आनी ल्हवू-ल्हवू (त्या वाठारांत) चड घोळपी भाशा वा संपर्क भाशा...*

*– एक वांटेकार*

ताका राज्याचे आनी गिन्यानाच्या व्यापक क्षेत्राचे भाशे कडेन जोडूंक जाय. ह्या वेळार प्रादेशीक भासो वापरून भुरग्याचे स्वताचे भाशेचेर प्रभाव घालूंक फावना. अशें केल्ल्यान नव्यो गजाली खरेपणान समजूंक मदत जातली आनी ताच्या शिकपा-सवरपांत आत्मनिर्भरताय आनी आत्मविस्वास निर्माण जातलो. भुरग्यान जे भाशेंत पयले फावट उलोवपाक सुरवात केली, ते भाशेंतच ताची समजणी घडटा आनी तांतूतल्यानच भुरगीं अर्थ काडटात. ते अर्थ भुरग्यांचे जिणेंत भोवच म्हत्वाचे आसतात, हें आमी मानून घेवंक जाय. देखून आमकां वर्गांत एक नवी तयारी करची पडटली.

*ही कितली दुखेस्त गजाल, आमी स्वराज्याची खबर लेगीत परकी भाशेंत करतात. जी शिक्षण पद्दत ब्रिटिशांनी भायर मारल्या, ती मुकूट जावन आमच्या माथ्यार बसल्या, हें आमी जाणा जावंक जाय. तांणी जें भायरायलां, आमी ताकाच अज्ञानान दसून रावल्यात. आपापले भाशेची उदरगत करपाचे तांचे यत्न चल्ल्यात. वेल्स हो इंग्लडाचो एक ल्हानसो वाठार. ताची भाशा कुस्कुटा येदी. ते भाशेचो जिर्णोद्धार चल्ला.*
*वेल्सांतलीं भुरगीं वेल्स भाशेंतच उलयतलीं, असो यत्न चल्ला. हांतूत इंग्लंडाचे खजांची (खजीनदार) लॉयड जॉर्ज हांचो व्हडा प्रमाणांत वांटो आसता... आनी आमची दशा कितें? आमी एकमेकांक चीट लेगीत अर्दकुटे इंग्लिशींतल्यान बरयतात. आमचे बऱ्यांतले बरे विचार परगटावपाचें माध्यम आसता इंग्लीश; जर*

*अशें जायतो तेंप चल्लें, जाल्यार फुडें येवपी पिळगी आमचो द्वेस करतली आनी तांचो शाप आमच्या आत्म्याक लागतलो, अशें म्हजें मत आसा. म्हाका दिसता, आमी आमच्या सगल्या भासांक परजळीत, गिरेस्त करूंक जाय. आमी आमचे भाशेंतच शिक्षण घेवंक जाय – हाचे कितें फायदे आसात, तें चड समजावपाची ही सुवात न्हय. इंग्लीश भाशेंतलीं जीं पुस्तकां उपेगी आसात, तांचो आमकां आमच्या भासांनी अणकार करचो पडटलो.*

*– 'हिंद स्वराज्यां' तल्यान*

- काळ, भास आनी समजणी परिवर्तनशील आसतात आनी ही परिवर्तनाची प्रक्रिया मतींत दवरूनच आमी अर्थावणेच्यो संदी दिवंक जाय.
- संवसारभरांतल्यो भासो शिकपाची तांक घेवन भुरगें जल्मता. ताचे हे तांकीचो वर्गांत भोवमान करूंक जाय.
- भुरग्याच्यो संकल्पना, ताच्यो अनुभुती आनी ताची उलोवपाची भास हांकां वर्गांत सुवात आसूंक जाय.
- आमी भुरग्याक भाशेचे ध्वनी/नाद हांचे कडेन खेळपाच्यो संदी दिवंक जाय.
- आपले अर्थ लावपाच्यो संदी आमी भुरग्याक दिवंक जाय.
- परिभाशे बगर संकल्पने मेरेन पावपाची वेवस्था शिक्षकांनी तयार करची पडटली.
- पाठ्यसामुग्रीच्या मर्यादांचो विस्तार करचो पडटलो.
- अणकाराचे यांत्रिकतायेक सर्जनशील करची पडटली.
- संदर्भा बगर भास शिकपाचे यत्न सोडून दिवचे पडटले. म्हणल्यार क, ख, ग, घ वा र, ल, ल, व म्हणल्यारच भास, हो गैरसमज पयस करचो पडटलो.
- भुरग्याची अस्मिताय, संस्कृताय आनी विकास हांचे कडेन भाशा जोडिल्ली आसता.
- भुरग्याचें फुडें सरपाचें माध्यम भास आसता.
- एखादरी नवी वस्त पळयतना भुरगें तिका भाशे कडेन जोडून पळयता.
- भास अणभवांची व्याख्या करपाचो आनी तांचें विश्लेशण करपाचो आदार जावन आसा.
- जीं भुरगीं उलोवंक शकनात, तांचे लागींय बी एक भास आसता. शिक्षकांक

हेंय बी करचें पडटलें, शाळेंतले भाशेंत (हिंदी, कोंकणी...) थळाव्या भासांच्या/बोलयांच्या प्रवाहाक अनिर्बंदपणान येवपाक दिवंक जाय, जायत साबार उच्चार वा वाक्य रचणुको वा म्हणी-ओंपारी. तांतूतल्यान शाळेंतली भास (हिंदी, कोंकणी...) आनी थळावे समाज-गट, दोगांयकूय बळगें मेळटलें.

## सार्थक शिक्षणाचे यत्न

आमचे शिक्षण पद्दतीन भुरग्यांचेर दुसरी भाशा लादून 'मोनेळपणाची संस्कृताय' जल्माक घातल्या. भुरग्यांचे समजणेचीं सगलीं दारां बंद करून उडोवपाचो हो यत्न. साबार जुंव्यांनी घडिल्लो एक ल्हानसो देश आसा - पपुआ गिनी. ह्या देशान आपल्या भाशा-धोरणा वरवी, चारशें परस चड भासांनी प्राथमीक शिक्षण दिवं येता, हें सिद्ध करून दाखयलां. ह्या देशान भाशेक 'समजणेचें वाहन' करपाचो यत्न केला. आपले स्वताचे भाशेचो वापर करता आसतनाच तांणी भुरग्यांक इंग्लीश वा हेर एखादरे भाशे कडेन जोडपाचो यत्न केला. आमकांय बी हेच दिखेन यत्न करचे पडटले... प्राथमीक शिक्षणाच्या संदर्भांत आमी जपान, कोरिया, क्यूबा, फिनलँड आनी कॅनडा सारक्या देशांच्या भाशा-धोरणाचें अनुकरण करूंक जाय. खंयचेंच भुरगें आपले भाशेक लागून फाटीं पडूंक जायना, हे गजालीचेर कॅनडान खाशेलें लक्ष दिलां. आमच्या 'शिक्षणाचो अधिकार' ह्या कायद्यान आवयभाशेंतल्यान शिक्षण दिवपाचेर भर दिला. भुरग्यांच्या बऱ्या शिक्षणा खातीर तें सार्थ जावपाची गरज आसा. भुरग्यांक आपले तांकी विशीं विस्वास निर्माण जावचो, असोय आमचो यत्न आसचो पडटलो. अशे तरेचें शिक्षण पयले भाशेंतच दिवं येता. भासशास्त्रज्ञ अशेंय म्हणटात, जेन्ना पयली भाशा समृद्ध जाता, तेन्नाच दुसरी भास शिकूंक सोंपें जाता.

* * *

# 3

# भोवभाशीकताय



- भोवभाशिकतायेचो उद्देस
- भुरग्यांची भाशीक क्षमताय
- सार्वभौमी व्याकरणाची परिकल्पना
- भोवभाशीकताय आनी अल्पसंख्य तशेंच आदिवासी भासो
- भोवभाशीकताय आनी दक्षिणी भारतीय भासो
- भोवभाशीकताय आनी इंग्लिशीचो वर्ग
- भोवभाशीक वर्ग
- भोवभाशिकतायेचीं आव्हानां

एक दीस एका गांवांत व्हडलो बोवाळ जालो. गांवांत एक खगोलशास्त्रज्ञ आयला... तो नखेत्रांचो व्हड जाणकार आसा. दोन दीस ताणें गांवांत राबितो केलो आनी मळबा वटेन तेळीत बसलो. तिसरे दिसा तो खंयच दिश्टी पडूंक ना. लोकांनी सोदूंक सुरवात केली...मेळ्ळो. पूण खंय...? एके बांयेंत बुचकळ्यो मारतालो. लोकांनी म्हणलें,''जो जमनीचेर चलपाचो मार्ग नकळ, तो मळब आनी कितें जाणटलो?'' भुरग्यांनी आपले स्वताचे भाशेंत शिकपा संबंदान हो प्रसंग भोवच म्हत्वाचो आसा. आमकां भुरग्यांची स्वताची जमीन पयलीं घटमूट करची पडटली आनी ते खातीर शिक्षणाच्या संवसारांत जे सिद्धांत आमकां राबोवपाचे आसात, त्या सिद्धांतांची गजाल हे प्रक्रियेंत करची पडटली. हांतूत हेंय बी स्पश्ट जाता, आमकां जमिनी/बुन्यादी शिक्षणाचे मार्ग सोदचे पडटले. भोवभाशीकताय हो असोच एक मार्ग आसा.

## भोवभाशिकतायेचो उद्देस

भोवभाशीकताय आमचे जिणेचो एक गरजेचो वांटो आसा. आमची संस्कृताय आमचे अस्मिताये कडेन जोडल्या. आमी सगले भोवभाशी आसात आनी आमी भोवभाशी आशिल्ल्यान आमकां हेरां कडेन जोडूंक आनी हेरांक समजूंक सोंपें जाता. आयज एका देशांतल्यान दुसऱ्या देशांत लोकांचें यो-वच जाता आनी थंयचे अर्थीक, समाजीक जिणेंत लेगीत ते आपली सुवात निर्माण करतात. ताकाच

लागून आयजच्या काळात एक राष्ट्र, एक भाशा हे संकल्पनेक कसलीच सुवात ना. अशे तरेन चिंतप म्हणल्यार फकत बेमानपणाचेंच न्हय, तर पुराय संवसाराच्या गिन्याना कडेन आडनदर करपा सारकेंच आसा.

ही गजाल आमकां समजता आनी आमी ती वेव्हारांत लेगीत हाडटात. ही गजाल भुरग्यांचे जिणे कडेन संबंदीत आसा, हें कोणूच न्हयकारूंक शकना. तशें जाल्यार भुरग्यांक हिचे पसून कोण पयस दवरता? भुरग्यांक समजुपा खातीर, तांचे कडलें नातें तिगोवपा खातीर, तांकां शाळे कडेन जोडपा खातीर तांच्या घरांतली भाशा आनी शालेय भाशा हांचे मदीं एक पूल बांदपा खातीर भोवभाशिकतायेची भुमिका भोवच महत्वाची आसा.

भुरगीं आवयभास जाणटात, भोंवतणेच्या वातावरणांत तिचो उपेग जातना पळयतात. आतां गरज आसा ती ही की तांची भाशा आनी दुसरी भाशा हांचे मदीं एक पूल बांदूंक जाय. अशे तरेन दोन-तीन हेर भासो ताचे मेरेन आमी पावोवच्यो, जाका लागून भुरगें सहजतायेन शिक्षण आत्मसात करूंक शकतलें.

आवयभाशेचो उपेग फाटीच्या कण्या भशेन चालूच उरपाक जाय. बरोवप-वाचप आमी एकूच फावट शिकतात. आवयभाशेंत हें कौशल्य जर पक्कें जालें जाल्यार हेर भासांनी बरोवप-वाचप भोवच सोंपें जाता.

## भुरग्यांची भाशीक क्षमताय

चडशीं भुरगीं शाळेंत येवच्या पयलीं फकत एकूच न्हय तर जायत्यो भासो जाणटात. शाळेंत येवचे पयलीं भुरगें सुमार पांच हजार वा ताचे परस चड उतरां जाणटा. अशे तरेन भोवभाशीकताय म्हणल्यार आमची वळख वा आमचे अस्मितायेची निदर्शक आसा. इतलेंच न्हय तर पयसुल्ल्या गांवांतल्या 'एकोडो भाशक' आशिल्ल्या मनशा कडेन लेगीत संदेश वहनाच्या साबार अवस्थांनी योग्य अशे तरेची भाशा

> *सगल्या भुरग्यां लागीं चार वर्सांचे पिरायेचेरच जायत्यो भासो शिकपाची क्षमताय आसता.*
>
> x x x
>
> *भारतीय संविधानाचो अनुच्छेद 29 म्हणटा, "दरेकल्याक आपले भास आनी संस्कृतायेची राखण करपाचो अधिकार आसा." अनुच्छेद 30 आनी 350 ए लेगीत ह्याच संदर्भांत सांगतना आपापले भाशेची राखण, सांबाळ आनी सुलभताय हांचे विशीं सांगतात.*

वापरपाची तांक आसता. साबार अभ्यासांतल्यान हें सिद्ध जालां, भोवभाशिकतायेचे जाणविकायेचो विकास, समाजीक सोंशीकपण, विकेंद्रीत चिंतन आनी शिक्षणीक उपलब्धी हांचे लागीं सकारात्मक संबंद आसता. भासाविज्ञानीक नदरेन लेगीत जांकां आमी बोलयो/मोडी, आदिवासी भासो वा ग्राम्य/गांवगिऱ्यो/गांवठी/घांटी भासो बी म्हणटात, त्यो सगल्यो समानरुपी विज्ञानीक भासो आसतात. भासो एकमेकांच्या सहवासांत – लागसाणेंत फुलतात, फळटात, तेच वांगडा आपली खाशेली वळख लेगीत राखून दवरतात. भोवभाशीक वर्गांत दरेका भुरग्याचे भाशेक भोवमान दिवप आनी भुरग्यांच्या भाशीक विंगडपणाक शिक्षणीक शाखांचो एक वांटो मानून शिकोवप, हें अनिवार्य आसूंक जाय.

## सार्वभौमी व्याकरणाची परिकल्पना

भाशेचे जाणकार लेगीत शिक्षणा संदर्भांत हीच गजाल करतात. दरेके भाशेंत स्वर आनी व्यंजनां आसतात. दरेके भाशेचें आपलें अशें एक खाशेलपण आसता आनी एक भास दुसरे भाशे भशेन आसना. दरेक भास 'अनन्य'/'असादारण' आसता. देखीक 'हांव म्हजें मत मांडपाचो यत्न करतां', 'ट्राय करता', 'तूं खावपाचो यत्न कर', 'ट्राय करून तरी पळय' हीं वाक्यां पळयात. दरेका वाक्यांत ट्राय उतराचो संदर्भ बदलता, हें देखींतल्यान स्पश्ट जाता. पर्यायवाची उतरांक, सदांच एकूच अर्थ आसता, अशें ना. जे व्यक्तीक दोन वा दोनां परस चड भासांचें गिन्यान आसा, ताचे कडेन एकेच भास-वेवस्थेचे दोन वांटे आसतात, तशेंच वेगळ्या वेगळ्या भासांच्यो वेगळ्यो वेगळ्यो वेवस्था लेगीत आसतात. 'नजर लागली गार्डनाक' हें खंयचे भास-वेवस्थेंतलें वाक्य? उर्दू, कोंकणी कांय इंग्लीश...? तिनांचेंय आसूं येता. 'मुंडे नाल मैं नी जा सकती' (चल्या वांगडा हांव वचूंक शकना). पंजाबींत 'मुंडे' वांगडा 'दे' (हिंदींत 'के') लावपाची गरज आसना. ही सगली भाशेची आपली वेवस्था आसा. भुरगीं आपूण जावन तांचे सरभोंवतणी उलयतल्या भासांचे ध्वनी, वाक्य रचणुको आनी अर्थ जाणटात. दोन भाशां मदलें अंतर लेगीत. देखीक

*नागालँडांत इंग्लीश भाशेक सरकारी कामकाजाची भास केल्या, पूण गरज म्हूण 17 आदिवासी भाशांक लेगीत प्राथमीक पांवड्या वयल्या शिक्षणांत आपणायल्यात. एके भाशेंत तर एम.ए. मेरेन लेगीत शिकूं येता. सर्व शिक्षा अभियाना वरवी, भुरग्यांक तांचेच भाशेंत शिकोवपाचे यत्न चल्ल्यात.*

मैसूरांतलो मनीस 'कंघी' (फणी/दांतोणी)क 'कोघी' म्हणटलो. जर आमी भाशांची वेवस्था जाणून घेतली जाल्यार भास शिकपांतल्यो आडखळी सहजतायेन पयस जातल्यो. जाचे कडेन दोन वा चड भासो आसतात, ताचे कडेन, एक शरीर दोन आत्मे आशिल्ले भशेन जाता. हो विकासाचोच एक भाग. एक गजाल मतींत दवरूंक जाय, भास नश्ट जाली जाल्यार तिचे सयत संस्कृताय लेगीत नश्ट जातली. आफ्रिकेंत भास नश्ट जाल्ल्यान, एक पुराय संस्कृताय नश्ट जावपाचे धडेर पाविल्ली. पूण लोक वेळारच सादूर जाले.

## भोवभाशीकताय आनी अल्पसंख्य  तशेंच आदिवासी भासो

ज्यो भासो संख्येन उणे लोक उलयतात, तांची भुरगीं सामन्यपणान शाळेंत येवंक पावनात. भोवभाशिकतायेक भोवमान दिवन आमी त्या सगल्या भुरग्यांक शिक्षणाच्या आवाठांत हाडूं येता. भोवभाशिकताये संबंदान भाशीक अल्पसंख्यांकांचो हो अधिकार आसता की तांकां आपले भाशेंत प्राथमीक शिक्षण मेळचें. भास-संरक्षणा खातीर एक यंत्रणाय बी स्थापन जावची. एक अल्पसंख्यक भास-आयोग स्थापन जाला, जांतूत कांय भासो अश्योय बी आसात ज्यो अल्पसंख्यक नात, पूण शिक्षणाच्या आवाठा भायल्यो आसात, अशीय स्थिती आसा.

आदिवासी भुरग्यांक फुडें हाडपा खातीरच भोवभाशिकतायेची गजाल केल्या, अशेंय बी संशोधनां सांगतात. आदिवासी भुरगीं जेन्ना शाळेंत येतात, तेन्ना तांकां नवी भास मेळटा, घडये आसामी जायात वा हेर एखादरी भास. राष्ट्राच्या मुख्य प्रवाहांत तांकांय बी हाडपाचे नदरेन तांकां शाळेंत दाखल करतात. जायत तांची भास 'चेन्जूफ वा हेर खंयचीय. परिणाम असो जाता, जे भाशेंत तांकां संस्कृतायेची समजणी जाल्ली आसता, ते भाशे पसून तीं पयसावतात.

## भोवभाशीकताय आनी दक्षिणी भारतीय भासो

एक समजणी अशीय आसा, भारताचे दक्षिणे कडल्या वाठारांनी थंयच्यो भासो तमिळ, कन्नड, तेलुगू वा मलयाळम आनी इंग्लीश समजणे खातीर पर्याप्त आसात. त्रिभाशा सुत्रा प्रमाण तिसरी भास हिंदी शिकप तांचे खातीर वजें जावं येता. सगल्या राज्यांची आपली एक अधिकृत भास आसा. भुरग्यांच्यो आपापल्यो आनीकूय भासो आसात. आनी तिसरी भास इंग्लीश लेगीत आसा. आतां प्रस्न असो उप्रासता, इतल्यो भासो आसून लेगीत मुळावें शिक्षण आवय-भाशेंतल्यानच कित्याक?

ह्या संदर्भांत मतींत दवरपाची गजाल म्हणल्यार जायतीं भुरगीं पांचवी यत्ते उपरांत शिक्षण सोडटात. आवयभास तांकां पयलीं सावनच येता. देखून पांचवी यत्ते मेरेनचे शिक्षण तांचे आवयभाशेंत जालें जाल्यार तें सोंपें जातलें, ना जाल्यार पांचूय वर्सां दुसरी भास शिकपाच्या बोवाळातच वतलीं आनी तीं 'सार्थकफअशें कांयच करूंक पावचीं नात. त्रिभाशा सूत्र म्हणल्यार भोवभाशीक संकल्पना न्हय, आनी तें धोरणय न्हय. ताका एक उपक्रम म्हणूं येता. तांतूतले भाशांचे विविधतायेचे गजालीचो पुनर्विचार जावपाची गरज आसा. तो भोव–भाशिकताये वरवीच जावंक पावतलो.

## भोवभाशीकताय आनी इंग्लिशीचो वर्ग

इंग्लीश शिक्षणाचो उद्देस, आमच्या सगल्या भाशांक समृद्ध करूंक शकतले अशे भोव–भाशक तयार करप हो आसा. हीच राष्ट्रीय पांवड्या वयली मानून घेतिल्ली नदर आसा. देखून इंग्लीश खंयचेय यत्तेंत (I-III वा IV वा V/VI) सुरू करूं, ती अर्थपूर्ण पद्दतीन शिकोवंक जाय. पूण सर्वसादारणपणान इंग्लीश वर्गांत आवयभाशेचो प्रवेश घुसखोराच्या रुपांत जाता. जापो बरोवन घेतना शिक्षक 'धड्या वांगडाच अनुवाद आनी व्याख्या' करीत वता. समजणी घडोवपाच्या क्रमांत स्वैरपणान उपेग करून वा इंग्लिशी कडेन तिचो संबंद जुळोवन भुरग्याचे मायभाशेक सुवात दिवं येता. प्रभू (1987) हांची एक देख दितात – ''बेंगळुरू' प्रकल्पांत आवयभाशेच्या वापराची शीम, गरजे प्रमाण सहजतायेन निश्चीत जाल्ली. थंय सामुग्री इंग्लिशींत आशिल्ली आनी जापो लेगीत इंग्लिशींतच येताल्यो. गरज थंय आवयभाशेंतल्यानच इंग्लीश भास समजायली. जर इंग्लिशींत विंगड विंगड तरांची सामुग्री उपलब्ध आसत आनी ती समजून घेवपाचो बरो यत्न आसत जाल्यार आवयभास आडखळ थारना, उरफाटी ती सहायक थारता.'' क्रेशन (1985 : 94) म्हणटा,''वांगडाच केल्लो अनुवाद प्रभावी थारना'' पयले भाशेचो फांटभुयेचेर उपेग करून मोख–भाशेचो आशय समजावपा खातीर करप – अशे तरेन वर्गांत दोन भासांचो उपेग करूंक जाय.

इंग्लीश भाशेच्या शिक्षणाची सामुग्री तयार करपा खातीर आवयभाशेच्या वयल्या प्रयोगांची समजणी घडोवपाचे नदरेन शिक्षकांची भागीदारी निश्चीत करपाची गरज आसा. भाशा–शिक्षणाचे वयर उल्लेख केल्ले पांवडे कितें आसूं येतात, ह्या विशयाचेर शिक्षकांचे मानसिकतायेक संबोधीत करपाची गरज आसा.

**कांय शक्यतायो :**

- प्राथमीक शाळांनी भासां मदल्यो आनी 'भासो' आनी 'विशय' हांचे मदल्यो आडखळी पयस करपाचे यत्न करचे पडटले. निम्न प्राथमीक पांवड्यार वा उण्यांत उणें 1 ते 3 यत्ते मेरेन जे उपक्रम/ स्वाध्याय भुरग्यांक तांचे सरभोंवतणेच्या वातावरणा विशीं जागृत करपा खातीर दितात, ते इंग्लिशी वांगडाच आवयभाशेंतय दिवं येतात (दास 2005). अशे तरेच्या भोवभाशी उपक्रमांच्या विकासा खातीर, सामुग्री तयार करपाचे नदरेन शिक्षकांच्या सहकार्यान एक तंत्रप्रणाली तयार करपाची गरज आसा. तांतूत एका परस चड भाशांच्यो देखी आसतल्यो. तांतूत कोड-बदलपाची सदळसाण लेगीत आसची पडटली.
- एका परस चड भाशांनी समांतर धडो घालप, मागीर तो एक काणी लेगीत आसूं येता. एन.बी.टी.न इंग्लिशी वांगडाच भारतीय भासांनी लेगीत कथा छापल्यात (पळयातः अमृतावल्ली आनी रामेश्वर राव, 2001). तशेंच प्रॉमिज फावंडेशनान चार भारतीय भासो आनी इंग्लिशींत आकारान व्हड पुस्तकां तयार करून घेतल्यांत. सी.आय.ई.एफ.एल. च्या 'संपूर्ण भाशा दिश्टिकोना' खाला द्विभाशी पुस्तकां तयार केल्यांत. अशे तरेचे समांतर धडे, जे एकमेकाचो शब्दशा अणकार आसपाची गरज ना, पूण ते समान अर्थ आशिल्ले आसचे आनी तांतूत एकेच तरेन भाशीक-चाल, देखीक यमक, ध्वनी-खेळ आदी येवची, जाका लागून भाशेचे ध्वनी आनी रचणूक दोनांय प्रतीं भुरगीं सतर्क उरतलीं. वाचप म्हणल्यार एक प्रसरणशील कळाशी. एके भाशेंत वाचपाची कुशळटाय दुसरी भास शिकूंक मदत करता (वेस्ट 1941). हें फकत समान लिपी आशिल्ल्या भासांनीच न्हय तर वेगळ्यो वेगळ्यो लिपयो आशिल्ल्या भासांनीय सिद्ध जाता (वेस्ट हांणी बंगाली आनी इंग्लीश भासांचेर वावर केलाः दोन लिपयांची स्थिती आनी वाचप्यांचे प्रसरणशिलताये विशीं आतां थोडी भोव माहिती उपलब्ध आसा).
- वयर दिल्ल्यो सुचोवण्यो एकमेका वांगडा वावर करपी भाशांच्या बाबतींत आसात. द्विभाशी शिकपी-शिकोवप्यां खातीर वा मिश्रीत कोड आशिल्ल्या द्विभाशी धड्यांचेर लेगीत कांय प्रयोगीक वावर जाला (पळयात डोवेरा 2005, फेलिक्स 1998). ह्यो शिक्षणीक शक्यतायो सोदून काडूं येतात.

*- इंग्लीश शिक्षण - आदार पत्र, पान 13-14*

## भोवभाशीक वर्ग

एखादरी भास कशी शिकयतात? हें कळपा खातीर बरोवपाचें शास्त्र पयलीं समजुचें पडटलें. हांगा तकली/मेंदू आनी हात हांचे मदीं संयोग/समन्वय जाय. 5–6 वर्सांचे पिराये मेरेन हो विकास सारको जायना. देखून बरोवप कठीण जाता. पूण भुरग्यांच्या मनांत प्रिंट/लिखाणाची संकल्पना वा समजणी तयार करपाचे नदरेन वाचपा वांगडाच बरोवप लेगीत सुरू करपाक जाय, अशेंय बी संशोधन सांगता. हें बरोवप रेखांनी (लायनींनी) लेगीत आसूं येता. हें समजून घेवप गरजेचें. आयकप आनी उलोवप भोवच म्हत्वाचें. गणीत शिकोवपाची गजाल घेतली जाल्यार भुरगीं पयलीं सावनच गणीत जाणटात. गणीत शिकचे पयलींच तांकां चॉकलेटी वांटून घेवंक कळटा. हेच तरेन उदकाचीं तीन रुपां – घन, द्रव आनी वायू, आवयभाशेच्या आदारान बरे तरेन समजावं येतात. पूण भुरग्यांच्या मनांत संकल्पना स्पश्ट जाल्या उपरांतच. आवयभाशेच्या माध्यमांतल्यान परिभाशीक उतरावळीचें आदान–प्रदान लेगीत जावं येता. दुसरी–तिसरी भास जोडली म्हूण हरकत ना, पूण आवयभाशेचेर प्रयोग जायत रावपाक जाय. भुरगीं आपले आवयभाशे वरवीं हेर भासो समजूंक लागतात. आमी फकत शिक्षणाचे न्हंयेचेर एक घटमूट पूल बांदूंक जाय.

आमी तीच गजाल आयकतात आनी समजून घेतात जी आमकां पयलीं खबर आसना, हेंय बी लक्षांत दवरूंक जाय. हेर सगलें आमकां किंकोंत दिसता आनी आमी तें सोडून दितात.

> *‘युनेस्को’च्या शिक्षणीक आदार पत्रा (2003) प्रमाण सुरवेच्या शिक्षणा खातीर आवयभास भोवच म्हत्वाची आसा आनी हे गजालीक जितलो पाळो दिवं येता तितलो दिवंक जाय. कांय अभ्यासकांनी (देखीक सहगल 1983) दाखोवन दिलां, जे विद्यार्थी आवयभाशेंतल्यान शिक्षण घेतात ते भाशीक वा विद्वत्तेच्या मळाचेर इंग्लीश माध्यमांतल्यान समान पांवड्याचेर शिकपी विद्यार्थ्यांचे तुळेंत खंयचेच नदरेन उणे पडनात. 15–17 वर्सां मजगतींच्या 78 भुरग्यांचेर केल्ल्या संशोधना उपरांत गुप्ता (1995) हांचें म्हणणें आसा, सुरवेचे अवस्थेंत दोन वर्सां मेरेन आवयभाशेच्या माध्यमाच्या रुपाचो उपेग केल्यार, भुरग्यां मदीं आवयभास आनी दुसरे भाशे विशीं चड बरी जागृताय निर्माण जावंक पावता.*
>
> *– भारतीय भासांचें शिक्षण, राष्ट्रीय फोकस पंगडाचें आदार पत्र, 1–3, पान 15*

गरज पडटकीच जे मजूर बिहारांतल्यान आसाम, पंजाब आदी वाठारांनी वतात, ते थंयच्यो भासोय बी शिकतात.

## भोवभाशिकतायेचीं आव्हानां

- सगल्यांत पयली गजाल म्हणल्यार, भाशेच्या रुपांत भास शिकोवप वेगळें आनी माध्यमाच्या रुपांत भास शिकोवप वेगळें. भास शिकोवप फकत भाशा-शिक्षकांचेंच काम न्हय. हेर विशय शिकप-शिकोवप भाशेच्या तत्वां बगर शक्य ना. विज्ञानांत लेगीत क्रियापदां, नामां आनी सर्वनामां आसतात. हिंदी वा खंयचीय भाशीक रचणूक आनी विज्ञानाची संकल्पना वांगडाच फुडें वचपाक जाय.
- भोवभाशिकतायेंत दुसरो प्रस्न येता तो लिपयेचो. देखीक जेमी भाशेन (आसाम आनी नागालँडांत) रोमी लिपी आपणायल्या. हे प्रक्रियेंत थंय भुरग्यांक 'ए' सावन 'झेड' मेरेन अक्षरां शिकयतात, पूण जेमी भाशेंत हीं सगलीं अक्षरां वापरांत नात.
- तिसरो प्रस्न म्हणल्यार शाळेंत बरोवपा-वाचपाचेर खूब भर आसता, उलोवपाचेर आनी आयकुपाचेर मात लेगीत आसना.
- शिक्षण अध्ययन सामुग्रेचो उपेग होय बी एक प्रस्न आसा. ती अभिरुची वाडोवपीय आसना आनी तिचो संस्कृताये कडेन संबंदय आसना. ओरिसाच्या आदिवासी लोकां मदीं जल्मदिसाक भेटी दिवपाची प्रथा ना, पूण तशे तरेच्यो देखी अभ्यासक्रमांत दिल्यात.
- भाशा शिक्षकाचे नियुक्तीच्या संदर्भांत लेगीत समस्या आसा. भाशा शिक्षकांच्यो नेमणुको जायनात. खंयचेय व्यक्तीक वा खंयच्याय विशयाच्या शिक्षकाक हें काम दितात. भासच मरे शिकोवपाची!
- खंयच्याच पांवड्यार समाज जोडपा खातीर कोणूच फुडाकार घेना. प्राथमीक पांवड्यार आवयभास उरप गरजेचें आसा आनी उपरांत हेर भासो जोडूं येतात, आडखळी येतल्योच पूण तांचेर उपाय सोदूं येतात.

> *हालीं तेंपार वर्गांतल्या इंग्रजी शिक्षणा कडेन पळोवन अशें दिसता, पयलीं लोक हिरे-माणकां लुट्टाले. हालीं तेंपार भाशे वरवीं मनां-काळजां लुट्टात.*
>
> *– एक वांटेकार*

- आमी जेन्ना वर्गांत शिकयतले तेन्ना एके भाशेचो दुसरे भाशे कडेन संबंद जोडटले. एकूच एक भास घेवन मुखार गेले जाल्यार कांयच जावचें ना. पूण दुख्ख हे गजालीचें आसा, जे तरेन शेतांभाटां, चिटयो/पत्रां आदी लुप्त जायत आसात, तेच तरेन जायतीं उतरां लेगीत लुप्त जायत आसात. देखीक व्हाळ, पाळण (पायण), पसरो, चोपडी आदी उतरां कोंकणींतल्यान वापरा भायरीं जाल्यांत/जायत चल्ल्यांत.

साहित्यिकांक लेगीत हे गजाली कडेन ध्यान दिवचें पडटलें, भोवभाशिकतायेक लागूनच आमी आनीक भाशो जाणूंक शकतात. कबीर भोवभाशी कवी आशिल्लो. ताणें लोकांक समजावपा खातीर सधुक्कडी (म्होंवाळ) भास आपणायली. हबीब तनवीराचें 'आगरा बाजार' आनी भिखारी ठाकूराचें गाजिल्लें नाटक 'बिदेसिया' भोवभाशिकतायेचे नमुने आसात.

आमचो देश भोवभाशी आसा. हाका लागून खूबश्यो भासो जाणा जाल्ल्यान फकत आमीच एकमेकां कडेन जोडचे नात, जाल्यार भासो लेगीत परस्परां कडेन जोडटल्यो. भास म्हणल्यार विचारांचें चक्र आनी द्विभाशी जावप म्हणल्यार मनीसपणाचो आत्मो. आमी एक असो समाज घडोवंक पळयतात, जो जायत्यो भासो उलयता, पूण आपापले आवयभाशे वरवीं. आनी सगल्यांक ती गजाल आपलेच विशीं आशिल्ले भशेन दिसची.

जॉर्ज स्टायनर हांणें आपलें पुस्तक 'द मॉडर्न व्हर्स इन ट्रान्सलेशन' आपले आवयक समर्पीत करतना बरयल्लें ''टू माय मदर हू स्पीक्स सॅवरल लँग्वेजीस बट इन हर ओन टंग'' (आवयक समर्पीत, जी साबार भासो उलयता, पूण आपले भाशेन).

*बर्लिटज भाशा स्कूल...कृती करून शिकप्यां खातीर संसाधनांची एक बेसबरी देख. तुमी आनीक एक भास शिकूंकच जाय, असो कायदो करून ही शाळा जबरदस्ती करिना. तुमी आनीक एक भास शिकतकीच तुमकां बरी नोकरी मेळटली वा तुमी जैतीवंत वा गिरेस्त जातले, अशेंय बी ते सांगिनात, तेच भशेन हेंय बी सांगिनात, तुमी शिकले नात जाल्यार हारतले आनी गरीब जातले. ते अशे तरेचें खंयचेंच वचन दिनात वा शिटकावणीय दिनात. ते फकत इतलेंच सांगतात, जर तुमी आनीक एक भास उलोवंक शकले जाल्यार तुमी तुमची जीण फुलयतले.*

*– शिक्षणा बगर, जॉन होल्ट*

## तिचे वांगडा गेली 'बो' भाशा, धोको मुखारय आसा...



*अंदमानांतले एके 85 वर्सांचे बायलेच्या – बोआ सिनियर, हिच्या मरणा वांगडाच एक प्राचीन भास 'बो' क जोडपी दुवो सासणा खातीर तुटलो. हाका भास-विज्ञानाच्या मळार एक भरून ना येवपा सारकें लुकसाण मानतात. हाचें कारण बोआ ही संवसारांतल्या प्राचिनांतल्या प्राचीन भासां मदलीं एक भास उलोवपी निमणी व्यक्ती आशिल्ली. अंदमानाच्या प्राचीन भासांचो स्रोत आफ्रिका आसा, अशें मानतात, हें उल्लेख करपा सारकें आसा. साबार अंदमानी भासो 70 हजार वर्सां आदल्यो आसात, अशें मानतात. अग्रगण्य भाशाशास्त्री प्रो. अन्विता अब्वी हांचें मत आसा, आपल्या आवय-बापायच्या मरणा उपरांत, फाटलीं 30-40 वर्सां 'बो' भास उलोवपी बोआ ही निमणी व्यक्ती आशिल्ली. बोआक जायते फावट एकलेपण दिसतालें. हेर लोकां कडेन उलोवपा खातीर तिका अंदमानी हिंदी शिकची पडिल्ली.*

*अंदमानी भास पाशाण-युगा पसून चलत आयिल्ल्या भासांचो निमणो अवशेश, अशें मानतात, देखून अशें म्हणूं येता, बोआ सिनियराच्या मरणाक लागून भाशांच्या गांठल्यांतली एक गांठ सासणाची शेणल्या. अंदमानांतल्या जमातींचे चार गट करतात. ग्रेट अंदमानी, जारवा, ओन्गी आनी संटीनली. बोआ सिनियर 'ग्रेट अंदमानी' गटांतली आशिल्ली. आतां ह्या जमातीचे सुमार 50 लोकच उरल्यात, जांतूत चडशीं भुरगीं आसात.*

*– 'बी.बी.सी. समाचार' च्या आदारान*

# 4

# विशयांच्या केंद्र स्थानार

## भाशा



- **इतिहासाच्या जनेलांतल्यान**
- **सगल्या विशयांचो शिक्षक मुळावो भाशेचो शिक्षक**
- **चिंतपाचें स्वातंत्र्य आनी मुळावेपणाचो प्रस्न**
- **भास आनी हेर विशय**
- **तंत्रीक उतरावळ आनी भुरग्यांची समजणी**
- **उच्च शिक्षण आनी हेर विशय**

भास म्हणल्यार एक साधन, उपकरण, जाचो उपेग आमी जीण समजुपा खातीर, तिचे कडेन जोडून घेवंक आनी जिणे-संवसार मांडपा खातीर करतात.

भाशा फकत संप्रेशणाचें, संवादाचें साधन न्हय, तर एक अशें माध्यम लेगीत आसा, जाच्या आदारान आमी चडांत चड माहिती मेळयतात. ही एक वेवस्था जावन आसा, जी आमचे भोंवतणीचे वास्तविकतायेक आनी घडणुकांक आमच्या मेंदवांत रचता. साबार तरेन ती आमचे वळखीची एक कुरू आसा. आनी निमणें ती समाजा कडेन, सत्ता आनी शक्ती कडेन भोवच लागीच्यान जोडिल्ली आसा. आमी फकत हेरां कडेन उलोवपा खातीरच न्हय तर स्वता कडेन उलोवपा खातीर लेगीत भाशेचो उपेग करतात. खरेपणान हें भाशेचें म्हत्वपूर्ण कार्य आसा. जर आमी आमचेच कडेन उलोवपाक शिकूं ना जाल्यार आमी आमचे विचार स्पश्टपणान कशे मांडूंक शकतले?

विंगड विंगड विशय-शाखा, देखीक इतिहास, भौतीकशास्त्र वा गणीत हांचे विशीं उलोवपा खातीर वा ते समजुपा खातीर लेगीत आमकां भाशेची गरज आसता. जायत सैम वा समाज, आमी चडश्या प्रमाणांत तांकां आमचे भाशेच्या रचणुकेच्या माध्यमांतल्यानच पळयतात.

गरीब वर्गांतली जीं भुरगीं इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांनी प्रवेश घेतात, त्या सगल्यांची काणी लागीं लागीं एकेच भशेन आसा. भाशे वांगडा ताळमेळ राखूंक जायना आनी तीं ल्हवू-ल्हवू उपेक्षितांचे दिशेन वतात. सरकाराच्यो जायत्यो

येवजण्यो हाका प्रमाण आसात. भासां मदलो भेद जिवीतभर तांचो सांगात करतलो, हे गजालीचेर शिक्षण वेवस्था कित्याक चिंतिनात, खबर ना.

*एका भुरग्याच्या पालकाची इत्सा आशिल्ली, आपल्या भुरग्यान इंग्लीश माध्यमाचे शाळेंतल्यान शिक्षण घेवचें. त्या भुरग्याच्या शेजारा-पाजाराक इंग्लीश भाशेचें वातावरण नाशिल्लें. तो भुरगो ल्हवू ल्हवू फाटीं पडत गेलो. सातवी-आठवी मेरेन पावता पावता तो साबार विशयांनी फेल जावंक लागलो, जाका लागून ताचो आत्मसन्मान आनी सर्जनशीलताय ल्हवू ल्हवू नश्ट जाली. ही स्थिती आयिल्ल्यान त्या भुरग्याक हिंदी माध्यमाचे शाळेंत घालचोच पडलो, हाचें कारण ताका णवे-धावेंत प्रवेश दिवंक इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांनी न्हयकार दिलो. पयले तीन चार म्हयने त्या भुरग्याक एका नव्या वातावरणांत शिकचें पडले, पूण उपरांत मात त्या भुरग्यान फाटीं वळोवन पळयलें ना. हाचें कारण आतां ताका सगळे विशय 'आपले भाशेंत' समजताले. तो आपले समजणेक आपले भोंवतणच्या वातावरणा कडेन जोडपाक शकलो. पळयतां पळयतां, णवेचे परिक्षेक तो बऱ्या मार्कांनी पास जालो.*

*- एक वांटेकार*

## इतिहासाच्या जनेल्यांतल्यान

मध्यकाळ आनी ताचे उपरांत जी हस्तकला विकसीत जाली ती आपापले भाशे वरवीं विकसीत जाताली, हें लक्षणीय आसा. शिल्पा खातीर वेगळीं वेगळीं केंद्रां आसतालीं, थंय ते आपापले भाशेंत गिन्यान आनी कुशळटाय प्रदान करताले आनी पिळग्यान पिळग्यो ती कुशळटाय चलताली. आतां तेंय बी सोंपलें, हाचें कारण भांडवलशायेच्या विकासाक लागून तीं शिल्पांय बी नश्ट जालीं. ताचे वांगडाच त्या शिल्पां कडेन जोडिल्ल्यो म्हणी-ओंपारी-वाक्प्रचार

*सामान्य शकाच्या 500 वर्सां आदीं वाराणशींत एक घडणूक घडिल्ली. भगवान बुद्धान पयलो उपदेश एके लोक-भाशेंत दिल्लो आनी ह्या उपदेशान भासांच्यो शिमो हुपून पुराय भारतांत आनी पुराय आशियेंत एक ज्योत पेटयली. मध्यकाळांत जेन्ना वाराणशींत कबीरान म्हणलें, 'संस्कृत है कूपजल, भाषा बहता नीर' त्या वेळार लेगीत जायत्यो भासो आशिल्ल्यो. पूण भारताच्या सगल्या भासांनी हो आवाज पावलो. भक्ती आंदोलनान पुराय देशाक एकवटाच्या सुतान बांदलो आनी समरसतायेचो प्रवाह सगल्यां मदीं व्हांवोवपाचें कार्य केलें.*

*- एक वांटेकार*

लेगीत नश्ट जाले. त्यो भासोय बी नश्ट जाल्यो. तीं शिल्पां, जीं समजणेचीं माध्यमां आशिल्लीं, तींय बी ना नपयत जालीं. हेच तरेन जांकां आदिवासी भासो म्हणटात, गिन्यानाचें एक भव्य भांडार, जें आदिवासी समुहा कडेन आशिल्लें, तें नश्ट जायत रावलें आनी जायत आसा. आतां जें आदिवासी क्षेत्र आसा, थंय शिक्षणाचें माध्यम एक तर इंग्लीश आसा वा हिंदी. चड करून थंय इंग्लिशीचें वर्चस्व दिश्टी पडटा आनी थंय लेगीत ‘आपले भाशेंतफ शिक्षण नाशिल्ल्यांत जमा आसा. हाका लागून देशी लोककला आनी शिल्पकला नश्ट जावपाचे धोके लेगीत वाडल्यात. हस्तकला आनी शिल्प तशेंच संगीत वांटोवपाचो आमचे कडेन एकूच मार्ग आसा – आपले भाशेचेर प्रभुत्व मेळोवप.

## सगल्या विशयांचो शिक्षक मुळावो भाशेचो शिक्षक

भाशेचो वापर करून प्रस्नांच्यो जापो सोदपाची प्रक्रिया आमच्या मेंदवांत कशे तरेन चलता आनी ती कशे तरेन संकल्पनांच्या विकासाचे दिशेन वता, ही गजाल जर होलमली जाल्यार समजणेचें माध्यम निश्चीत करप सोंपें जातलें.

संकल्पनां फकत सांगिल्ल्यान संकल्पनांचो विकास जायना. साहित्य अमूर्त आसा, पूण तांतूत लेगीत संकल्पनांचो विकास जायत आसता. समाजीक अध्ययनाच्यो चडश्यो संकल्पना नकाशांच्या आदारान घडटात आनी फुलतात. नकाशे गणिताच्या आदारान समजून घेवं येतात. नकाशे समजुपा खातीर गणीतच खाशेली समजणी विकसीत करता. इतिहासाचेर नदर मारूंक नकाशे मदत करतात. गणिताच्यो संकल्पना स्थूल आनी स्थायी आसतात. ताका लागून तांची वीण समजता. पूण समाजीक अध्ययनाची वीण बदलत आसता, जी फकत आपले भाशेक लागूनच समजता.

*प्राथमीक शिक्षणाच्या पुराय अभ्यासक्रमांत भाशीक दिश्टिकोन भोवच म्हत्वाचो आसता. साबार अर्थपुराय संदर्भां वरवींच भास सगल्यांत बरे तरेन शिकूं येता. देखूनच दरेका विशयाचें शिक्षण एका अर्थान भाशा शिक्षणच थारता. हो दिश्टिकोन माध्यमीक शिक्षणाच्या अमूर्त विचारांच्या संदर्भांत भाशेच्या मदेवर्ती स्थानाक अधोरेखीत करता. सुरवेच्या पांवड्यार संदर्भनिश्ठ अर्थ भाशा प्रयोगांक चालना दितात जाल्यार मुखा वयल्या पांवड्यार फकत भाशे वरवींच अर्थ कळूंक पावता. भाशा हो शिक्षणाचो केंद्रबिंदू आसा. दरेकलो शिक्षक पयलीं भाशा–शिक्षक आसता आनी उपरांत विशयाचो.*

*– एक वांटेकार*

## चिंतपाचें स्वातंत्र्य आनी मुळावेपणाचो प्रस्न

गांधीजींनी 'नई तालीम'ची येवजण तयार करतना आपल्या एका इश्टाचे शाळेंत भुरग्यांक प्रस्न केलो - ''एक मनीस एक आपोल (सफरचंद) चार आण्यांक विकतें घेता आनी एका रुपयान विकता. जाल्यार ताका कितें मेळटलें?'' भुरग्याचे जापेंत जर 'ताका बंदखण फाव जातली' ही जाप आयली ना जाल्यार तो भुरगो शॅर्त भाशेची गणिता कडेन सांगड घालून पळोवपी स्वतंत्र भारताचो भुरगो म्हणोवंक पात्र न्हय, अशें गांधीजी मानताले. आमकां आमच्या भुरग्यांक अशे तरेचें स्वातंत्र्य दिवंक जाय, जांतूत तो आपले भाशेंत आपलें मत परगटावंक शकतलो. भाशेंत जाल्ल्या शिक्षणांतल्यानच हें स्वताचे शक्य आसा.

विज्ञानाच्या विद्यार्थ्यांचेर दोट्टी जबाबदारी आसता. तांकां एकाच वांगडा दोन भाशांचें गिन्यान आसप गरजेचें आसता. एक समजणेचे भाशेचें आनी दुसरें विज्ञानाचे भाशेचें. विज्ञान प्रतिमांतल्यान उलयता. तें स्पश्ट विधानांची अपेक्षा करता. तें उकतेपणान भाश्य करता. विज्ञानाच्या विद्यार्थ्यांक 'नॉन कन्फर्मिस्ट' (परंपरा विरोधी) लेगीत जावचें पडटा. बुद्धान सांगिल्लें,''फकत जाणटेल्यांनी सांगल्यात म्हणून गजाली मानून घेवं नाकात, त्यो नियाळात, तपासात आनी मागीर मानून घेयात.'' शिक्षणांत आपले भाशेच्या स्वातंत्र्या बगर हें करप शक्य ना. हें स्वातंत्र्य शिक्षकाक दिवचें पडटलें. दरेकलो शिक्षक, मागीर तो गणिताचो आसूं वा विज्ञानाचो, तो भाशेचोच शिक्षक आसता. भास शिकोवप सगल्यांची जापसालकी आसा, फकत भाशा-शिक्षकाची न्हय. गणीत, समाजविज्ञान आनी अर्थशास्त्र सारक्या विशयांनी मुळावें चिंतन लेगीत फकत आपले भाशेंत जाल्ल्या शिक्षणाक लागुनूच शक्य आसा.

## भास आनी हेर विशय

भास आमच्या काळजांत आसता. संकल्पनांची चौकट हेच भाशेक लागून तयार जाता. आपल्या अणभवांच्या आदारान आमी आमच्या मनांत आयिल्ल्या चित्राक जिर्तेजिवें करून गिन्यान फुडें व्हरतात. गणीत, विज्ञान ह्या सगल्या विशयांनी अश्यो संकल्पना आसात, ज्यो वेगळ्या वेगळ्या गजालींचें स्वरूप आमचे मुखार त्याच रुपांत उबें करतात. देखीक 'पृथ्वी वांटकुळी आसा'. हांगा 'वांटकुळी' उतराची/अर्थाची संकल्पना आमचे मुखार प्रत्यक्ष तयार जाता. 'दोन भाकऱ्यो,

तीन भाव'. आमी भाकरेक 'दोनां' कडेन आनी भावांक 'तिनां' कडेन जोडूंक शकतात. चार वर्सा पिरायेचो भुरगो लेगीत हें सगलें करता. 'कदेला' ची परिभाशा दरेकल्याची आपापली आनी वेगळी-वेगळी आसतली. एके संकल्पने कडेन हेर संकल्पनांचो संबंद कशे तरेन निर्माण जाता, ही गजाल भुरगीं जाणटात. पूण शाळेंत ज्यो परिभाशा दितात, जे तरेन दितात, तांकां लागून घडये दुबाव निर्माण जाता. भुरग्याची आपली एक भास आसता, जांतूतल्यान ताणें आपलें व्यक्तिमत्व घडयल्लें आसता. समाजाची एक भास आसता, उपरांत विशयाची भास लेगीत म्हत्वपूर्ण थारता, जिचे वरवीं ताका माहिती करून घेवपाची आसता. जी भाशा भुरग्यांक कळटा, तांतूत वाचप-बरोवप, गजाली समजून घेवप सोंपें आसता. हाची अंमलबजावणी कशी करची, तेंच आमकां थारांवक जाय. जर शिकपा-बरोवपाच्या सुरवेच्या वर्सांनी समजणी घडोवंक वा वाडोवंक आपलीं उतरां मेळ्ळीं जाल्यार सगलें सोंपें जातलें, प्रतिमा निर्माण करप सोंपें जातलें.

शाळेंत गणितांत 'सिलिन्ड्रिकल' उतरा खातीर 'दंडवृत्ताकार' (लाटण्या-आकाराचें) उतर वापरतात. ह्या उतराक लागून भुरग्याच्या मनांत खंयची प्रतिमा उबी जाता? - बॉल, वर्तुळ, वांटकुळें, वृत्ताकार, गोलाकार आदी.

## तंत्रीक उतरावळ आनी भुरग्यांची समज

हांगा आमी भुरग्यांच्या पूर्व-गिन्यानाचो नवें गिन्यान आनी नवे उतरावळी कडेन संबंद प्रस्थापीत करूंक सोदतात. 'चक्राकार'च्या वांट्याक 'कांकणाचो आकार', 'बॉलाचो आकार' सारकीं उतरां आमी कित्याक वापरूंक शकनात? चुंबका खातीर 'आकर्शण-विकर्शण' उतरांचो वापर आमी करतात. हीं उतरां आमी दीसपट्टीं वापरनात, तशें जाल्यार ह्या अनवळखी उतरांचें वजें कित्याक वाडोवपाचें? भुरग्यांची स्थिती अशी आसता, शक्त, ताकद, बळ, उर्जा ह्या साबार उतरांचो वापर तीं एकेच तरेन करतात. पूण त्या उतरांच्या तांत्रिकी वापरांत तांचे अर्थ बदलत वतात, हाचे खातीर तशें करप गरजेचें थारता. आमकां भुरग्यांच्या मनाचो उपेग करूंक येत व्हय? कांय देखी एन.सी.ई.आर.टी. च्या पुस्तकांतल्यान...

**सुमनाचो शेंकडो**

सुमनान विंगड विंगड तरांच्यो तिकल्यो घेवन एक डिजायन तयार केला.



- वेगवेगळ्या चित्रकृतीं कडेन लक्ष दिवन पळयात आनी तिकल्यांचे वट्ट संख्येचो अदमास करात.
- जांकां 100 तिकल्यो लागतल्यो, अश्यो कांय हेर चित्रकृती तयार करात, आसा त्या डिजायनांत शंबर तिकल्यो जावंक, तुमकां आनीक कितल्यो तिकल्यो लागतल्यो?

*स्रोत : गणित का जादू, पुस्तक 2, यत्ता 2, एन.सी.ई.आर.टी.*

*कितल्या सोपेंपणान भुरगीं गणीत शिकतात? आनी शिकतनाच आपले सरभोंवतणेचे जिणे कडेन जोडून घेतात?*

पानां

*सगल्या पानांचे रंग, आकार आनी देगो एकेच तरेच्यो आसात व्हय?*

*दयारामान सांगलें, ‘‘म्हाका खबरच नाशिल्लें, पानां इतल्या तरांचीं आसतात. पळयात, कांय वांटकुळीं, कांय लांबोडगीं जाल्यार कांय त्रिकोणी.’’*

*अम्मून म्हणलें, ‘‘ह्या सगल्यांचे रंग लेगीत कितले वेगळे वेगळे? कोण लेव पाचवें जाल्यार कोण गाड पाचवें. कांय हळ्डुवीं, तांबडीं, वांयग्यां रंगाचीं. एक पान तर आसा पांचवें, पूण ताचेर धवे थिपके आसात.’’*

*शबनमान म्हणलें, ‘‘पळय, पानांच्यो देगोय कितल्या वेगळ्या वेगळ्या तरांच्यो आसात? कांय पानांची देग सादी आसा जाल्यार कांय पानांची कातऱ्यांची. कांय पानांच्यो देगो करवती भशेन आसात. आतां हांव जातलें ‘झाडांची परी’’ अम्मू आनी शबनम, दोगांयनी एकदम म्हणलें.*

*कांय पानां एकठांय करात – लिंबू, आंबो, कडूलिंबू, तुळशी, ओट्टेलांव, कोथमीर अशे तरेच्या वनस्पतींचीं पानां एकठांय करात. हीं पानां तळव्यार घांसात आनी तांचो वास घेयात. सगल्या पानांचो परमळ एकेच भशेन आसा व्हय? फकत वासा वयल्यान तुमकां हीं पानां वळखूंक जायत?*

*पळयात, कितलीं सुंदर चित्रां जालीं तीं. बरोबर. सुक्या पानांनीच केल्यांत तीं. तुमीं लेगीत आतां सुकीं पानां घेवन विंगड विंगड मोनजातींचीं चित्रां तयार करात.*

*स्रोतः आस-पास, पर्यावरण अध्ययन, यत्ता 3*

*वाळवंटांतल्या लोकांनी आपले अणभव वेव्हारांत हाडपाचे नदरेन एक शास्त्र विकसीत केलां. ह्या शास्त्रान समाजाक उपलब्ध आशिल्लें उदक तीन रुपांनी वांटलां. पयलें रूप आसा ‘पालरपाणी’, म्हणल्यार सरळ जमनीर वोतपी पावसाचें पाणी. तें धतरीचेर व्हांवता आनी न्हंयो, तळयो आदीं भितर वचून सांठावता. उदकाच्या दुसऱ्या रुपाक ‘पाताळपाणी’ म्हणटात. तें उदक म्हणल्यार बांयतल्यान काडिल्लें उदक. पालरपाणी आनी पाताळपाणी हांचे मदीं उदकाचें तिसरें रूप आसा – ‘रेजाणीपाणी’ धतरींत भितर मुरिल्लें, पूण पाताळांत पावूंक नाशिल्लें पाणी म्हणल्यार रेजाणीपाणी.*

*स्रोतः वितान भाग 1, यत्ता II, हिंदी , एन.सी.ई.आर.टी.*

*वयल्या दोनूय देखींनी सोंप्या उतरावळीच्या माध्यमांतल्यान पर्यावरणाची वळख घडटा. दुसरे देखींत पालरपाणी, पाताळपाणी, रेजाणीपाणी सारक्या आदिवासी उतरांचो वापर तंत्रिकी उतरावळीच्या रुपांत न्हय तर कितले सहजतायेन केला. भुरग्यांक ही प्रक्रिया घोकंपट्टी करिनासतना सोंपेपणान कळटली.*

कांय हेर देखी–



आयज सुमन भोवच खूश आसा. ताचे शाळेंतलीं सगलीं भुरगीं शिक्षकां सयत भोपाळाक भोंवपाक वचपाचीं आसात. मिनाक्षी मॅडम आनी राकेश सर वट्ट कितल्यो बसी जाय, ते विशीं चर्चा करतातः

मिनाक्षी मॅडम : आमकां चार बसी लागतल्यो.

राकेश सर : म्हाका दिसता पांचांची गरज पडटली.

मिनाक्षी मॅडम : दरेके बसींत पन्नास सीट आसात.

राकेश सर : भुरगीं कितलीं येतलीं, तें पयलीं जाणून घेवया.

| यत्ता | भुरग्यांची संख्या |
|---|---|
| I | 33 |
| II | 32 |
| III | 42 |
| IV | 50 |
| V | 53 |
| वट्ट | 210 |




- बरें, सगलीं मेळून---- भुरगीं वतात.
- जर तांकां चार बसी दिल्यो जाल्यार कितलीं भुरगीं बसूंक पावतलीं?
- एखादरे भुरगें भायर उरतलें व्हय?




*– गणिताची जादू, पुस्तक 2, यत्ता 2, एन.सी.ई.आर.टी.*

**बेगीबेगीन... फटाफट**

भुरगीं वर्गांत घेर करून बसतात.
हीं भुरगीं खेळटात आनी गायतात.

कितें आसा वांटकुळें, कितें आसा लांब?
बेगीन सांग, बेगोबेग सांग

रिना म्हणटा –




सगळीं भुरगीं गायतात –
कितें आसा वांटकुळें, कितें आसा लांब
बेगीन सांग, बेगोबेग सांग

अशे तरेन खेळ चलता.




♦ तुमीय बी हो खेळ आपापल्या वर्गांत खेळात. दरेके फावट एक गोल आनी एक लांब अश्या वस्तुंचीं नांवां सांगात. जे वस्तुचें नांव एक फावट घेतलां, तें परतून घेवप ना.

*– गणिताची जादू, पुस्तक 2, यत्ता 2, एन.सी.ई.आर.टी.*

## भीमबेटका'चे दिखेन

बशींनी डिझेल भरतकीच, प्रवास परतून सुरू जालो...आतां पयलीं आमी भीमबेटका हांगा रावतले, अशें भुरग्यांक सांगलें.

अंजन : भीमबेटका म्हणल्यार कितें?

रैना मॅडम : हें एक अशें थळ जंय जायत्यो होंवऱ्यो आसात. आनी ह्या होंवऱ्यांनी चित्रां आसात, जीं धा हजार वर्सां आदीं काडल्यांत.

सुमंत : धा हऽऽऽजाऽऽऽर वर्सां! म्हज्यान एक हजार वर्सां आदलें लेगीत चिंतूंक जावचें ना.

गोपी : आऽऽवयस! एक हजार वर्सां म्हणल्यार खूब जालीं. म्हज्यान एका वर्सा आदलें लेगीत चिंतूंक जावचें ना.

गौरी : हांव 100 वर्सां विशीं विचार करूंक शकतां. हाचें कारण म्हज्या बापायची आजी, म्हजी व्हडली आवय 100 वर्सांची आसा.

मंजीत : हाचो अर्थ ह्यो होंवऱ्यो लागीलागी शंबर व्हडल्या आवयां इतल्यो पोन्न्यो आसात.

सगलीं जाणां व्हडाव्हडान हांसलीं – हाऽ हाऽ हाऽ.

भुरग्यांक होंवऱ्यां भितरलीं चित्रां पळोवपाची इत्सा जाली. सुमार 11 वरांचेर तीं भीमबेटका पावलीं.




*– गणिताची जादू, पुस्तक 2, यत्ता 2, एन.सी.ई.आर.टी.*

शंकर : ह्या चित्रांनी जायते व्हड-व्हड बैल काडल्यात. ओह! म्हाका एक आयडिया सुचली. हांव ह्या चित्रांतल्या बैलांक मेजतां. तूं मेरवांक मेज.

फातिमा : हांव चित्रांतले लोक मेजतां. पळोवया, कोण चड आसात - लोक, बैल काय मेरवां?




- ♦ हांगां बैलां परस मेरवां कितलीं चड आसात?....
- ♦ पूण फातिमाक सगल्यांत चड खोशी जाल्ली. हाचें कारण लोकांची संख्या बैल आनी मेरवां, दोगांयची संख्या मेळोवन लेगीत, ताचे परसय चड आशिल्ली. पूण ती संख्या 200 परस उणी आशिल्ली.
- ♦ ताणें कितले लोक मेजल्या आसतले?

  214, 154, 134, 177

गायडान सांगलें हांगा वट्ट 6000 होंवऱ्यां-चित्रां आसात.

आतां भीमबेटका सावन परतुपाचो वेळ जाल्लो.

*स्रोतः गणिताची जादू, पुस्तक 2, यत्ता दुसरी, एन.सी.ई.आर.टी.*

*(वयल्यो सगल्यो देखी म्हणल्यार भाशेच्या सबावीक रुपांत विशय मांडपाचो एक सुंदर यत्न).*

## उच्च-शिक्षण आनी हेर विशय

हाचे कडेन जोडिल्लो दुसरो प्रस्न म्हणल्यार, जर मुळाव्या पांवड्यार ह्या भासांचो उपेग जालो आनी तांकां ह्या भासांनी सुरवेचें शिक्षण दिलें जाल्यार मुखार कितें जातलें? अशें धरात धावी यत्ते मेरेन भुरगीं हे तरेन शिकली. जाल्यार मुखा वयलें शिकप तीं खंयचे भाशेंत करतलीं? तांणी धावी मेरेन संथाली शिकप केलें जाल्यार मागीर तीं अकरावींत वतलीं वा फुडें इंजिनियरिंग वा मॅडिसीन करतलीं तेन्ना तांचें शिकप खंयचे भाशेंत जातलें? जर तीं फकत बी.ए., एम.ए. करतलीं, जाल्यार खंयचे भाशेंत? जर तीं संथाली सारके एखादरे आदिवासी भाशेंतच शिकप करतलीं, जाल्यार आमचीं विद्यापिठां ह्यो भासो शिकोवंक सक्षम आसात व्हय? संथालींत शिकलींय बी जाल्यार तिसरो प्रस्न आसतलो, तांकां नोकरी मेळटली व्हय? आनी जर नोकरी मेळची ना जाल्यार कित्याक लागून मेळची ना? कसली ही वेवस्था जी आपलेच भाशेंत शिकिल्ल्या नागरिकांक नोकरी दिवंक शकना! हांगा नोकरी मेळोवपाक इंग्लिशीचें गिन्यान अनिवार्य जावन पडलां. पूण हालीं तेंपार पुराय संवसारांत जी सेगीत घसरण जायत चल्ल्या आनी मंदीचें ल्हार आयलां, तें पळोवन पुराय संवसाराक अशें दिसूंक लागलां, फकत इंग्लिशीचें गिन्यान पर्याप्त ना. आमकां भुरगीं आनी समाजा मदीं हाचे विशीं विस्वास उत्पन्न करचो पडटलो.

> *उच्च शिक्षणांत ही समजणीं घेवन फुडें सरपाची गरज आसा. पूण कांय गजालींचे बाबतींत विचार करचो पडटलो. सगल्या भासांनी इतली सामुग्री उपलब्ध आसा व्हय? संवसारभर शिक्षणा विशीं जें इतलें चिंतन जालां, तें सगल्या भासांनी उपलब्ध आसा व्हय?*
>
> *– एक वांटेकार*

प्राथमीक शिक्षण धरून देशाचे अर्थ-वेवस्थे मेरेन हें तंत्र पातळ्ळां. फकत समजणेच्या माध्यमाचीच गजाल न्हय. समजणेचें माध्यम मेळ्ळ्या उपरांत जिवीत सारपाचें माध्यम कितें आसतलें? म्हणल्यार आमकां समजणी, समज मेळटली खरी, पूण आमी जिवीत कशें सारतले? जो मेरेन अशे तरेची अर्थ-वेवस्था आनी समाजीक-वेवस्था निर्माण जावची ना, तो मेरेन समजणेच्या माध्यमाच्या रुपांतल्या आमच्या आवयभासांक आनी देशांतल्या हजारांनी भाशांक कसलोच फुडार आसचो ना. हाकाच लागून आमी घेऽऽ म्हणून गांवांनी हिंदीचीं

वा इंग्लिशीचींय बीं फकाणां मारूं, पूण निमणें निरुपायान दरेकल्या आवय-बापायक आपल्या भुरग्यांक हिंदी वा इंग्लिशींतल्यानच शिकपाक घालचीं पडटात. ते म्हणटात, सगल्यांत बरें इंग्लिशींतल्यान शिकोवप. ते हुसक्या मेकळे आसतात, कितेंय जावं, भुरग्याक शीतकडी तरी मेळटलो. जो समाज आमी घडयला, त्या समाजाक बदलपाचोय प्रस्न आसा आनी तेन्नाच आमी समजणेचें माध्यम म्हूण आमच्यो भासो वापरूंक शकतले.

रशिया आनी संवसारांतल्या जपान, चीन आदी देशांनी आपापले भाशेंतल्यानच प्राथमीक धरून विद्यापीठ पांवड्या मेरेन शिक्षण दिलें. जर्मनीन तेंच केलें. चीन तेंच करता. इंग्लीश भाशेचो मोह आसून लेगीत चिनी भासच थंय गिन्यानाची भाशा जाल्या, मुळाव्या पांवड्या सावन उच्च-शिक्षणा मेरेन. पूण आमच्या देशांत आजून अशी स्थिती ना. हाचो एक खूब व्हड परिणाम असो, आमच्यो भासो गिन्यानाच्यो भासो जावंक नात. स्वातंत्र्या पयलीं विंगड विंगड मळांचेर वावुरपी जाणकार आशिल्ले. मुळावे विचारवंत आशिल्ले. उपरांत ते उणे जायत गेले. जगदीश चंद्र बोस हांणी आपलीं चडशीं पुस्तकां बंगाली भाशेंत रचलीं. उपरांत त्याच संस्कारांनी प्रेरीत जावन म्हान विज्ञानीक जयंत नारळीकर हांणी मराठींत आनी हिंदींत लेगीत बरयलें. मेघनाथ साहा हांणी आपलीं पुस्तकां बंगाली भाशेंत बरयलीं. अशे तरेन गिन्यानाच्या विंगड विंगड मळार लोक आयले आनी तांणी आपापल्या भासांनी मराठी, बंगाली, तेलुगु, तमिळ, मलयाळम हांतूत गिन्यान वाडयलें. पूण उपरांत मात तें उणें जायत गेलें. तें आतां वाडूंक जाय. तें उणें जावपाचें कारण आमची मोख फकत फायदो आशिल्ली. अशे तरेचे 'उपेगी' मनीस तयार करप जे फकत पोट भरूंक शकतले. पुराय देश अशे तरेचे मनीस तयार करतालो, जांकां वस्तू विकूंक येतात, वस्तू विकतल्यांची सेवा करूंक येता आनी जे विकपा खातीर भायल्यान वस्तू हाडूंक शकतात. ही परिस्थिती बदलपा खातीर आमचे भाशेंतल्यान शिक्षण दिवपाचेर भर दिवंक जाय. आमचे भाशेक ज्ञानभाशा करची पडटली आनी हाचे खातीर विंगड विंगड भासां मदीं, विंगड विंगड ज्ञान-शाखा मदीं संवाद घडोवन हाडचो पडटलो. सद्याची ज्ञान-भाशा इंग्लिशी कडेन लेगीत जायत्या पांवड्यांचेर संवाद निर्माण करचो पडटलो.

*आमी मतींत दवरपाची गजाल. रशियेन जेन्ना 1917 उपरांत नव-समाज निर्मणी केली, तेन्ना असो समाज घडयलो, जांतूत ल्हानांतले ल्हान भाशेक लेगीत सुवात आशिल्ली. महमूद रसूल हमजातोव, दागिस्तान (रशिया) हांगा रावतालो आनी आपल्या पुराय खानदानांतलो पयलो शिकिल्लो मनीस आशिल्लो. ताची भास 'अवार' आशिल्ली. अवार भास उलोवपी चडांत चड दोन-चार लाख लोक आशिल्ले. आतां घडये हाचे परसय उणे जाल्या जातले. पूण ह्या दोन-चार लाख लोकां खातीर तांचे भाशेंत शिक्षणाची वेवस्था तांणी केली. ताचो परिणाम असो जालो, रसूह हमजातोव सारको संवसारभर नांवाजतो साहित्यकार तयार जालो. 'म्हजें दागिस्तान' ही ताची अप्रूप साहित्यकृती. घडये संवसारांतले खंयचेच दुसरे भाशेंत अशे तरेची कृती आसची ना. संवसारांतल्या हेर भासांनी तिचो अणकार जालो. फकत दोन लाख लोकांचे भाशेंत बरयल्लें पुस्तक आयज संवसारांतल्या म्हान पुस्तकां मदीं मेजतात. पूण दुसरे वटेन आफ्रिकेंत अशें घडना. थंयचे भाशेंत गिन्यानाची बरपावळ तयार जायना. किनियाचो लेखक अंगूगी जेन्ना इंग्लिशींत बरयतालो तेन्ना म्हान लेखक आशिल्लो. पूण ताणें जेन्ना आपली भास 'किकियु'त बरोवपाची इत्सा परगटायली तेन्ना ताचेर लोकांनी बहिश्कार घातलो आनी तो आयज निर्वासीत जीण जगता. आमच्या देशाक लेगीत आयज होच प्रस्न सतायता. आमचे भाशेंतलो बऱ्यांतलो बरो लेखक खंयतरी कोनश्याक पडून उरता. ह्या संकटाचेर मात करपाचे नदरेन आमी रशिया, जर्मनी, चीन, जपान आदी देशां कडल्यान शिकचें पडटलें आनी आमचे भाशेक ज्ञान-विज्ञाना कडेन जोडचें पडटलें.*

*– एक वांटेकार*

## म्हजो अणभव

आवयभाशेचेर म्हजो इतलो मोग आसूनय बी आयज मेरेन भुमिती, बीजगणीत आदींची गुजरातींतलीं परिभाशीक उतरां म्हाका खबर नात. आतां म्हाका समजलें, जर इंग्लिशीच्या वांट्याक हांवें गुजरातींत शिकिल्लें जाल्यार अंकगणीत, भुमिती, बीजगणीत, रसायनशास्त्र आनी खगोलविद्या हांचे विशीं शिकूंक जीं म्हाका चार वर्सां लागलीं, ताचे वांट्याक हांव एका वर्सां भितरच सहजतायेन शिकतलों आशिल्लों. त्या विशयांचें गिन्यान म्हाका चड सोंपेंपणान आनी चड स्पश्टपणान मेळटलें आशिल्लें. म्हजी गुजराती उतरावळ चड गिरेस्त जातली आशिल्ली. ह्या गिन्यानाचो हांव घरांत लेगीत उपेग करतलों आसलों.

* * *

म्हाका अशें दिसता, ते भाशेचीं (इंग्लिशीचीं) रत्नां... आनी तिचींच कित्याक? संवसारांतल्या हेर भासांचीं रत्नां लेगीत आमी आमच्याच देशी भासां वरवीं गुंथचीं. रवीन्द्रनाथांच्या अद्वितीय रचनांची खाशेलपणां जाणून घेवपा खातीर म्हाका बंगाली भास शिकपाची गरज पडना. बऱ्या अणकारा वरवीं म्हाका तीं कळटात. गुजराती भुरग्यांक टॉलस्टॉयाच्या कथांचें आस्वादन करपा खातीर रशियन भास शिकपाची गरज पडना. अनुवादीत कृतींतल्यान ते तिचो आस्वाद घेवंक शकतात.

* * *

शिक्षणाचें माध्यम बेगोबेग आनी कितलेंय मोल दिवन बदलपाक जाय आनी प्रांतीय भासांक तांची उचीत/फावो ती सुवात मेळूंक जाय.

*– हरिजन 9-7-38 पान 177, महात्मा गांधीजींचो वेंचीक वावर (खंड V)*

5

# भाशां मदीं संवाद

**(संदर्भ : इंग्लीश आनी हिंदी)**



- **इंग्लीश आनी हिंदी मदले संबंद**
- **१९६७ उपरांत**
- **१९८७ चो काळखंड**
- **परिवर्तनाचो नवो काळखंड**
- **इंग्लिशीच्या विकासाचो इतिहास**
- **नवीं उतरां घडोवपाची गरज**

## इंग्लीश आनी हिंदी मदले संबंद

स्वातंत्र्याचे चळवळी मजगतीं आनी ताचे उपरांत जाल्ल्या आनी जावपी देश निर्माणाच्या वावरांत इंग्लीश आनी हेर भासां मदले संबंद केन्ना बरे जाल्यार केन्ना वादग्रस्त जाल्यात. 1947 मेरेन तांचे मदीं खाशेले संबंद आशिल्ले.

स्वातंत्र्य चळवळी वेळार हो सगललो वावर हिंदी खातीरय बी समर्पीत आशिल्लो आनी स्वातंत्र्या खातीर लेगीत. त्या वेळार लेखकांचो आपले भाशेचेर मोग आशिल्लो आनी तिचे खातीर तांणी वावरय केलो, पूण इंग्लिशीचो द्वेस केलो ना. स्वातंत्र्या वेळार आनीक एक गजाल सामकार आयली. म्हान शास्त्रज्ञ जगदीश चंद्र बसू हांणी आपल्यो जायत्यो साहित्यकृती बंगालींत रचल्यो. लक्ष्मण शास्त्रीन आपले भाशेंत बरयलें आनी इंग्लिशींत लेगीत बरयलें. पूण 1947 उपरांत परिस्थिती बदल्ली. ताचे उपरांत इंग्लिशीचो वापर सुरू जालो. जायत्या तत्कालीन इतिहासकारांनी हिंदीच्या विकासाचो इतिहास हिंदींत न्हय, इंग्लिशींत बरयलो. तत्कालीन समाजशास्त्रज्ञां मदले पूरनचंद्र जोशी सोडून हेर सगल्यांचें लिखाण इंग्लिशींतच आशिल्लें.

## 1967 उपरांत

1967 सावन एक परिवर्तन घडलें. बारीकसाणेन पळयल्यार विशेक वर्सांच्या अंतरान भासांच्या संदर्भांत एक बदल घडलो. 1967 च्या कालखंडाक इंग्लिशीच्या विरोधाचो वा तिरस्काराचो कालखंड म्हणूं येता. गाड्यांच्यो नंबर प्लेटी आनी

जाग्या–जाग्या वयले बोर्ड बदल्ले. बिहार, उत्तर प्रदेश आदी राज्यांनी चडूच विरोध जालो. जे लोक इंग्लिशी आड हें आंदोलन चलयताले तांकां आपलीं भुरगीं खंय आनी कशीं शिकतात, हाचो विसर पडिल्लो. हाका लागून त्या दिसांनी इंग्लीश माध्यमांत शिकतल्या भुरग्यांचेर कितें परिणाम जातालो, हाचोय बी हिशेब मांडूंक जाय. दुसरे वटेन, इंग्लीश शिक्षणा बगर मुखार सरले, अशेय बी लोक आशिल्ले, हेंय बी मतींत घेवंक जाय. तांचें कितें वाकडें जालें वा ना, हाचेरय संशोधन जावं येता. ह्या काळखंडाची सुरवात खूब पयलीं सावन जाल्ली, जिचो खाशेलो उल्लेख नेहरू हांणी 'डिस्कवरी ऑफ इंडिया'त केल्लो – प्रस्न पडटा,''इंग्लिस्थानाच्या दोन रुपांतलो खंयचो इंग्लिस्थान हिंदुस्थानांत आयलो? शेक्सपिअर आनी मिल्टनाचो; उदारमतवादी लेख आनी शौर्याच्या कामगिरींचो; राजकी क्रांती आनी स्वातंत्र्याच्या हक्का खातीर झुजप्यांचो; विज्ञान आनी उद्देगांचे उदरगतीक उर्बा दिवपी इंग्लिस्थान हांगा आयलो काय बहशियाना जाब्ता फौजदारीचो आयलो? (हिंदुस्थान की कहानी पान 333) – हे वेपारी स्पेनांतले आसूं वा पुर्तुगालांतलें, एक व्हड प्रस्न तर उप्रासताच न्ही? मेजक्याच लोकांचो एक गट तयार जायत गेलो, अशे तरेची परिस्थिती निर्माण जाली. ते आपलें काम इंग्लीश भाशेंत करीत रावले. तांकां तमाम सवलती गावत रावल्यो आनी ते फुडें वचत रावले. संतुलन जायना जालें. भोवसंख्य लोक फाटीं उरले.

शालेय शिक्षणांत हिंदी आनी इंग्लीश शिक्षणाचें चित्र वेगळेच तरेन उबें रावलें. थंय पयली ते पांचवी यत्ते मेरेन इंग्लीश नाशिल्ली. सवे यत्ते सावन इंग्लीश शिक्षण सुरू जातालें. शिक्षकांचें इंग्लीशीं विशीं‌चें गिन्यान आनी व्याकरण भोवच बरें आशिल्लें, पूण ते इंग्लीश बरे तरेन उलोवंक शकनाशिल्ले. जरी तांची लिखीत इंग्लीश भोवच बरी आशिल्ली, तरी उलोवपांत प्रवाही भास नाशिल्ली. ह्या काळखंडांत लोक दोन गटां मदीं वांटून गेलो – एक इंग्लिशींत काम करपी गट आनी दुसरो इंग्लिशीक विरोध करपी गट.

## 1987 चो काळखंड

जेन्ना आमी 1987 च्या काळखंडांत पावले, तेन्ना आमकां इलॅट्रॉनिक आनी न्यू मिडियाचो विशाल संवसार आमचे सामकार आयिल्लो दिश्टी पडलो. हो काळखंड माहिती प्रसार क्रांतीचो आशिल्लो. एका वेगळ्याच विश्वाची जाणविकाय जावंक

लागली आनी इंग्लिशी बगर भुरगे फाटीं पडटले, अशें दिसपाक लागलें. गांवांनी लेगीत इंग्लीश शाळो सुरू जावंक लागल्यो. सगळे जाण अशें मानूंक लागले, इंग्लीश कळना जाल्यार आमी फाटीं उरतले. आतांय बी तोच काळखंड चालू आसा. समा आसूं वा चूक, फडाफडा इंग्लीश उलयतल्याचो प्रभाव तर पडटाच आनी ताका कामय मेळटा. आयज जो समाज आमचे मुखार आसा, जे तरेची अर्थीक आनी सामाजीक रचणूक उबी आसा, ती इंग्लिशीचीच आसा. प्रस्न असो पडटा, हाचे उपरांत कितें जातलें? ह्या विशयाचेर आमी कितेंय चिंतूंक पावल्यात काय फकत फुडेंच धांवत आसात? भुरग्यांक खंयचे भाशेंत समजणी मेळटली? हें चिंतूंक वा ताचो हिशेब मांडूंक कोणाक फुरसतच ना. शीत-रोस दुसरे भाशेंतल्यान लेगीत मेळोवं येता, पूण समजणी आपलेच भाशेंत मेळटली. स्वातंत्र्या उपरांत कितले विज्ञानीक, अर्थतज्ञ वा समाजशास्त्रज्ञ भारतान संवसाराक दिले हाचेरय बी आमी विचार करूंक जाय. दुबाव विरयत, हाचें कारण सुरवेचें शिक्षण आमचे भाशेंत नाशिल्लें, हेंच आसा.

## परिवर्तनाचो नवो काळखंड

आतां भाशेच्या संदर्भांत परतून परिवर्तनाचो काळखंड आयला. फ्रांस, चीन, रशिया, जपान ह्या देशांनी भाशेच्या विशयांत नवे तरेन चिंतप सुरू जालां. आतां ते आपले भाशेंतच उलोवपाक प्राधान्य दितात. पूण भारताची परिस्थिती वेगळी आसा. आमी आजूनय बी हीन-ग्रंथींचे बळी आसात. आमचे भाशे विशीं आमच्याच समाजाचो दिश्टिकोन सकारात्मक ना. हाची देख म्हणल्यार, आत्मसन्मान व्हगडावन लेगीत आमी आमच्या भुरग्यांक इंग्लिशींत शिकोवंक सोदतात.

संवसारांतल्या जायत्या देशांनी, आपापल्या भासांक जिवीत राखून आनी तांचे प्रतीं भोवमान राखतनाच हेर, व्हड व्हड देशांची बराबरी केल्या आनी विकासाच्या मार्गार ते फुडें पावल्यात. इंग्लीश-हिंदीच्या संबंदांक आमी हे नदरेंतल्यानय बी पळोवचें पडटलें. आपले भाशेचो सन्मान राखून लेगीत हेर भासांचो भोवमान करूं येता, असो विस्वास आमकां आमच्या लोकांक दिवचो पडटलो.

आपले भाशेक भोवमान दिवपाच्या उद्देशान किनियाचे फामाद इंग्लीश लेखक अंगूगी हांणी इंग्लिशींत बरोवपाचें सोडून दिवन आपले भाशेक - किकियूक आपणायली. पाब्लो नेरुदाची इत्सा आशिल्ली, आपले भाशेंत शिक्षणा खातीर

विद्यापिठां स्थापन जावचीं, पूण हेर भासांक लेगीत तेच पंगतींत मानान बसूंक मेळचें.

## इंग्लिशीच्या विकासाचो इतिहास

आमी आनीक एके गजाली कडेन लक्ष दिवंक जाय, इंग्लीश भास लेगीत एक दीर्घ संघर्श करून हांगा मेरेन पावल्या. सुरवेक इंग्लीश ही इंग्लंड आनी अमेरिकेंत कुली–कामगार आनी मजुरांची भास आशिल्ली आनी शेक्सपीअर लेगीत हेच भाशेचो भाशक आशिल्लो. हाचो अर्थ इंग्लीश फकत शेक गाजोवपीच भाशा न्हय.

हे भाशेच्या विकासाचेर उजवाड घातल्यार कळटलें, जें झूज आयज आमच्यो भासो खेळटात, तें झूज इंग्लिशीन लेगीत झुजलां. 16–17 व्या शेंकड्या मेरेन इंग्लीश ज्ञान–भाशा नाशिल्ली. आपले उचीत सुवाते खातीर तिणेंय बी संघर्श केला. परिस्थिती अशी आशिल्ली, कांय खानदानी स्कुलांच्या परिसरांत इंग्लिशींत उलोवंक मनाय आशिल्ली. फ्रांसीस बेकनान इश्टागत, प्रेम सारक्या विशया वयले आपले लेख इंग्लिशींतल्यान बरयले, पूण न्याय, दर्शन, गणीत हांचीं पुस्तकां, ज्ञानाची बरपावळ लॅटिनांतच बरयली. इंग्लंडांतले विज्ञानीक लॅटिनांतच बरयताले. न्यूटनाची आवयभास इंग्लीश आशिल्ली. पूण ताणें आपणालीं मुखेल पुस्तकां लॅटिनांतच बरयलीं. ताणेंय लॅटिनाचोच वापर केलो. जेन्ना तळागाळांतल्या वर्गांतल्यान शास्त्रज्ञ येवपाक लागले, तेन्ना इंग्लिशींत बरोवंक सुरवात जाली आनी एकोणिसाव्या शेंकड्या मेरेन इंग्लीश भास पातळ्ळी. शिक्षणांत इंग्लिशीचो वापर वाडतच गेलो. आयज ज्ञानाची सगल्यांत व्हड भास इंग्लीशच आसा.

## नवीं उतरां घडोवपाची गरज

एके वटेन संवसारांतल्यो सगल्यो भासो एक जायत आसात जाल्यार दुसरे वटेन भासशास्त्रज्ञांक हो हुस्को आसा, शिममेरो तुट्टात, बाजारपेठेन रशियन, इंग्लीश, जर्मन आदी सगल्या भाशांक एकेच भशेन केल्यात. खरेपणान एकामेकां कडेन संघर्श करीतच भासो घडटात. हिंदीन लेगीत जायतीं उतरां इंग्लीश आनी हेर भासां कडल्यान जश्याच्या तशीं घेतल्यांत. पूण दरेके भाशेचो आपलो एक इतिहास आसता, आपलो एक सबाव आसता, आपली एक मोड वा शैली आसता. खंयचीय भास हेर भाशांक सामकारावन आपले तरेन नवीं उतरां घडयता. जे परीं हिंदीन ‘ऑफिसर’ चे ‘अफसर’ केलें.

*फकत उतरां आनी अर्थान भाशा तयार जायना. भाशा शब्द–प्रतिमांतल्यान लेगीत घडटा. देखीक 'कमळ' उतर घेतलें जाल्यार सगल्यां मुखार एका फुलिल्ल्या कमळाच्या फुलाची प्रतिमा/चित्र तयार जाता, जी 'कमळ' उतरा परस वेगळे तरेची आसता. हाचो अर्थ आमी सगल्यांनी 'कमळ' ज्या रुपांत पळयलां, तेंच आमचे खातीर 'कमळ'. दुसरी देख. 'बाल्कनींत उबें आशिल्लें चली उदास आसा', अशें म्हणटकीच सगल्यां मुखार एके तरेची बाल्कनी उबी रावता. आयचे धांवाधांवीचे जिणेंत ह्या अर्थ–प्रतिमां खातीर अवकाश उरूंक ना.*

*– एक वांटेकार*

'रिपोर्ट' चें 'रपट' केलें, 'सिमेंट' चें 'सिलमीट' केलें. पूण आयज इंग्लिशी कडेन चार हात करून नवीं उतरां घडोवपाचो हिंदीचो आत्मविस्वास सामको उणो जायत चल्ला. इंग्लिशींतलीं उतरां, जशीं आसात तश्शीं, तांच्या उच्चारणा सकट आपणावपाचें चेंपण वाडत चल्लां. देखीक हिंदींत 'कॅनॅडा'चें 'कनाडा' जावप, 'ऑलिंपिक्सा'चें 'ओलंपिक' म्हणप वा 'चायना'क 'चीन', 'रशिया'क 'रूस' म्हणपाची आनी बरोवपाची चाल उणी जायत चल्ल्या. हिंदी भाशक उतरांक तांच्या मुळाव्या उच्चारणां सयत राखूंक अधीन जाल्यात. ही प्रवृत्ती हालीं तेंपार हिंदी एके तरेचे आत्महिणतायेचो बळी जाल्या हे गजालीचो संकेत आसा. तिची निश्ठा समाजाचे ताकदी कडेन चड आसा, भाशेचे तांकी कडेन उणी. डॉ. राममनोहर लोहियांनी भाशे विशीं भोवच वावर केल्लो. ते सांगताले, घांसून घांसून उतरां घडटात. उतरांक घासूंक जाय. उतरां घांसून घांसून नवीं उतरां घडोवपाची हिंदी वा हेर भासांची जी कळाशी आशिल्ली, ती ल्हवू–ल्हवू इंग्लिशी मुखार दिमी मारूंक लागल्या. हें एक व्हड संकश्ट. इंग्लिशीन लेगीत हिंदी कडल्यान जायतीं उतरां घेतल्यांत आनी तांकां आपले तरेन घडोवपाचो यत्न केला. हाचोच अर्थ हिंदी आनी इंग्लिशीं मदीं परस्पर देवघेव वाडल्या. हिंदी वा खंयचेय भाशेंत हेर भासांतल्यान ताजे हवे भशेन मेकळेपणान उतरां येवपाक दिवंक जाय. हिंदीन आपलीं दारां हेर भासांतल्या उतरांक बंद करपाचो सेगीत यत्न केला. हाची संस्कृतीक वा इतिहासीक कारणांय बी आसूंक शकतात. आमकां हेंय बी मतींत धरूंक जाय, ज्या भासांनी आपलीं दारां उकतीं दवरल्यांत, त्योच भासो फुलत–फळत रावल्यात. ध्वनी, विचार, शब्द आनी वाक्य रचनेच्या पांवड्याचेर भासां मदीं सदांच देव–घेव चालू आसता. आमच्या संबंदांक आनी वेव्हारांक लागून भास तयार जाता. देश–विदेशांत जंय जंय लोकांक ठार मारतात. जर तांचे वांगडा आमचो संबंद

नासत जाल्यार आमची अभिव्यक्ती संवेदनहीण जावं येता.

भाशेचो मुद्दो एका व्हड समाजीक झुजाचो मुद्दोय बी आसा. ह्या झुजांत भास एक गरजेचें शस्त्र आसा. पूण आमकां ह्या व्यापक झुजांत भाशीक अस्मिताय वळखून इंग्लिशी कडेन संवाद करीत नवीं उतरां घडोवपाचो यत्न करचो पडटलो. इंग्लिशीच्या लेखकांनी हें काम केलां.

जनजाती/आदिवासी भासांतल्या उतरांच्या आदारान एक शक्यताय निर्माण जाल्या. हिंदी भास जितली आदिवासी भाशां कडल्यान तुटत गेली, तितली ती एकोडी जायत गेली. देखीक, रंग, सुवाद, संबंद/नातींगोतीं, कृशी आनी वाणिज्य हांचे विशींचीं उतरां जितलीं आदिवासी अणभवांनी आसात, तितलीं नागरी अणभवांनी ना. देखीक दुखी संबंदान जायतीं उतरां भोजपुरी भाशेंत आसात, जीं हिंदींत नात – देखीक दुखाता, बथता, पिडाता, टभकता, कसकता, टसकता आदी (हीच गजाल कोंकणी भाशेंत पळयल्यार दुखता, कसकसता, फोडटा, उसळटा, किसकिसता, किणकिणटा... आदी). ह्या सगल्या उतरांचे वेगळे वेगळे संदर्भ आसात. आमकां हिंदी भाशेक एके भाशीक संस्कृतायेच्या रुपांत उबी करपाची आसा. उतरांक एकमेका मुखार झुजोवन तांकां तांची ताकद परतून दिवची पडटली. हाचे खातीर इंग्लीश उतरांच्या वांट्याक नवीं उतरां घडोवपाचो/सोदपाचो बऱ्यांतलो बरो पर्याय चिंतचो पडटलो. हाका लागून भाशां मदीं शब्दांची देवघेव आनी संवाद घडोवन हाडपाचो मार्ग मेकळो करचो पडटलो.

***संवादाचे यत्न***

*सेकमोल लडाखी भाशेचे प्रमाणीकरणाचे दिकेन यत्न करता. ताचे खातीर ताणें लडाखी लिपींत एक खबरापत्र रेवाई ओजर (Rewai Odzer) आनी एक नेमाळें मेलांग (Melong) सुरू केलां. तेच वांगडा भुरग्यांच्यो काणयो दोनूय भाशांनी, लडाखी आनी इंग्लिशींत उजवाडावपाचें महत्वाचें काम केलां.*

*हाचे भायर तो प्राथमीक पांवड्या वयल्या ई.व्ही.एस. पाठ्यपुस्तकांच्या तशेंच भाशेच्या विकासा कडेन लेगीत जोडिल्लो आसा. ही पाठ्यपुस्तकां इंग्लीश भाशेंत आसात, पूण लडाखी भाशेच्या झलकी सयत, शिक्षकां खातीर तांची लडाखी भाशेंत आवृत्तीय बी काडपाची ताची येवजण आसा. अशे तरेन जेन्ना ल्हवू-ल्हवू थळावे लडाखी भाशेंत मजकूर छापपाक लागतलो, तेन्ना लडाखी भाशेंत पाठ्यपुस्तकां येवप शक्य जातलें.*

*– भारतीय भासांचें शिक्षण, आदार पत्र, 1-3, पान 60-61*

6

# मुद्दे आनी आव्हानां



- **शिक्षकाची सज्जताय**
- **समाजीक सज्जताय**
- **प्रशासकी सज्जताय**

समजणेच्या माध्यमाक अंमलबजावणेचें रूप दिवपाचे नदरेन एके दीर्घ येवजणेची निश्चिती करूंक जाय. स्वातंत्र्याच्या सुमार 75 वर्सां उपरांत लेगीत आमी हें करूंक पावुंनात. ही येवजण एकोडो शिक्षक, शिक्षण प्रशासन वा शिक्षणीक जाणकार करूंक पावचो ना. आमचे मुखार अशे साबार प्रस्न आनी आव्हानां आसात, जांतूत समाज, शिक्षक आनी प्रशासन हांची भुमिका म्हत्वपूर्ण थारतली. हें समजून घेवप भोवच गरजेचें आसा.

## शिक्षकाची सज्जताय

आमचे भाशे कडेन परतुपाची खूब काळा उपरांतची ही एक सुरवात आसा. जांतूत सगल्यांत पयली आनी महत्वपूर्ण भुमिका शिक्षकाची आसा, जो आवय-बापाय उपरांत भुरग्यां वांगडा सगल्यांत चड वेळ आसता. ल्हान भुरग्यांक शाळे कडेन जोडपाची, शिक्षणा कडेन जोडपाची जापसालकी शिक्षकांचीच आसता. शाळेची भाशा आनी घरांतली भाशा हांचे मदीं पूल बांदपाचें कामय बी शिक्षकच करतात. ही दुराय तेन्नाच पयस जातली, जेन्ना आमी भुरग्यांचे भाशेंतल्यान शिक्षण दितले. हाचे खातीर शिक्षक प्रशिक्षित जावप भोवच गरजेचें. राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा-2005 भितर अशी शिफारस केल्या, आदिवासी क्षेत्रांनी जेन्ना शिक्षकांची नेमणूक जातली, तेन्ना तांकां थंयची थळावी भास शिकोवपाची वेवस्था करूंक जाय. थंयचे थळावे भाशेंत शिक्षण दिवपाचे नदरेन शिक्षकाक स्वायत्तताय, मेकळीक दिवची पडटली. वर्गांतल्या भोवभाशीक भुरग्यांक वळखून तांचो संसाधनाच्या रुपांत वापर करपाचें स्वातंत्र्य लेगीत ते स्वायत्ततेंत आसपावता.

- आमच्च्या देशांत जायत्यो बोलयो आनी भासो आसात. भुरग्यांच्या भासांनी आमचे लागी आजूनय पुस्तकां उपलब्ध नात. 22 भासो संविधानाचे आठवे अनुसुचींत आस्पाविल्ल्यो आसात. प्रस्न हो आसा, ह्या 22 भासांनी पुस्तकां उपलब्ध नात. हाची जबाबदारी शिक्षक आनी सरकार, दोगांयची आसा. जर आपली जबाबदारी निभावंक सरकार असफल जाता, जाल्यार भुरग्याक ताचे आवयभाशेंत शिक्षण दिवप ही शिक्षकाची जापसालकी जाता. एन.सी.एफ.-2005 शिक्षकांच्या ह्या स्वातंत्र्याची शिफारस करता.
- भुरग्यांक वर्गांत शिकयता आसतना अणभवांचेर आदारून पाठ्यसामुग्री तयार करपाचें पावल शिक्षकान घालूंक जाय. भुरग्यांचे यत्तेचे गरजे प्रमाण ही सामुग्री विकसीत जाल्ल्या कारणान ती एक बेसबरी पाठ्यसामुग्री जावंक पावतली.
- जंयच्यान विद्यार्थी आनी शिक्षक येतात, त्या समाजीक वातावरण/संदर्भांतल्यान शालेय शिक्षण भोवच प्रभावीत जाता. शाळा आनी वर्ग हांचें समाजीक वातावरण फकत शिकपाचे प्रक्रियेचेरच न्हय तर पुराय शिक्षण प्रक्रियेचेरूच प्रभाव घालता. हें लक्षांत घेवन विद्यार्थ्यांच्या मनोविज्ञानीक खाशेलपणाच्या वांट्याक ताच्या समाजीक, संस्कृतीक, अर्थीक आनी राजकी संदर्भा कडेन चड लक्ष दिवपाची गरज आसा - हांतूत समजणेचे भाशेची भुमिका समजून घेवची पडटली.
- शिक्षकाक भाशेची व्यापक समज आसूंक जाय.
- प्राथमीक स्तराचेर भुरग्यांची/च्यो भाशा/भासो सुदारी नासतना, ज्या रुपांत ती/त्यो आसता/आसतात त्याच रुपांत तिका/तांकां आपणावंक जाय. चवथी यत्ते उपरांत जर व्यापक आनी मनपसंत संदी दिल्यो जाल्यार भुरगीं भाशेक मानक रुपांत आपणायतात, पूण हे प्रक्रिये मजगतीं भुरग्यांची

*आवयभाशेंतल्या शिक्षणाक लागून वर्गांतलें शिकप समृद्ध आनी सोंपें जातलें. विद्यार्थ्यांची चड आनी चड सहभागीताय जातली आनी परिणाम बरे जातले. ह्या उद्दिश्टा खातीर फावो तितल्यो सुविधा उपलब्ध करून दिवंक जाय. आवयभाशेंत शिक्षणा विशीं सकारात्मक दिश्टिकोन निश्चीत करूंक जाय, जाका लागून ज्या माध्यमांतल्यान विद्यार्थी सहजतायेन समजतलो, तें माध्यम आपणावंक तो अनमनचो ना.*

*- भारतीय भासांचें शिक्षण, राष्ट्रीय फोकस पंगडाचें आदार पत्र, 1-3, पान 15*

आपले घरावे भाशे विशींची भोवमानाची उचीत भावना तिगून उरपाक जाय. हें मानून घेयात, चुको ह्यो अध्ययनाचो, शिकपाचो वांटो आसतात आनी भुरगीं जेन्ना परिपक्व जातात तेन्ना तीं आपूण जावन तांतूत सुधारणा करतात. चुको आनी उणेपणां सोदचे परस भुरग्यांक खोलायेन रुचीक आनी आव्हानपूर्ण आशय दिवपाचे नदरेन चड वेळ दिवंक जाय.

- शिकप म्हणल्यार कितें हे विशीं शिक्षकांची समज निर्माण करची पडटली, जिका लागून ते शिकपा विशीं अनुकूल वातावरण तयार करूंक पावतले.
- वंचीत भुरगीं आनी विंगड विंगड दुबळेपणां आशिल्ल्या भुरग्यांच्यो शिकपाच्यो गरजो समजुच्यो पडटल्यो.
- दुसरी भाशा शिकोवपाच्या पद्‌दतीं कडेन लेगीत शिक्षकाचें खाशेलें लक्ष आसूंक जाय.
- शिकोवपाची निश्चीत अशी तयारी आसची पडटलीं, जी वेव्हारीक आसतली आनी सिद्‌धांतीक लेगीत आसतली.
- भोवभाशिकतायेक संसाधनाच्या रूपांत कशी वापरूं येता, हाचें प्रशिक्षण दिवचें पडटलें.
- तेच वांगडा भोवभाशिकतायेच्यो शिमो कितें आसात? तेंय बी सांगचें पडटलें.
- शिक्षकांनी सेगीत भुरग्यांच्या पालकां कडेन संवाद करचो पडटलो.
- सेवापूर्व आनी सेवा-मजगतींच्या प्रशिक्षण वर्गांनी अशे विशय (समजणेची भाशा, भोवभाशिकताय, भासां मदीं संवाद आनी भासांची स्थिती) आसपावन घेवचे पडटले.
- विद्यालयांनी फकत भुरग्यांच्या बरोवपाचेर न्हय तर उलोवपाचेर-आयकुपाचेर लेगीत भर दिवचो पडटलो.

**समाजीक सज्जताय**

- आयज दरेक समाज-घटक आपल्या भुरग्यांक इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिकोवपाची इत्सा बाळगिता. तांची समजूत घालची पडटाली की इंग्लिशींत शिकिल्लें ताचें भुरगें आवयभाशेंत शिकिल्ल्या भुरग्याचे तुलनेंत सर्जनशिलतायेंत उणें पडटले. शाळेंतले वास्तविकताये कडेन जोडून घेवंक तें सक्षम जावचें ना. इंग्लीश माध्यमाची शिक्षण-प्रणाली ताचे खातीर फकत घोकंपट्टेची विद्या

जावन पडटली. समाज–प्रतिनिधींची (देखीक ग्राम पंचायतीची) ही जबाबदारी जावंक जाय. आवयभाशेंतलें शिक्षण भुरग्यांक रचनात्मक करपा वांगडाच तांकां आत्मविस्वासान भरिल्लीं आनी घटमूट करता, हें तांकां समजूंक जाय. आयज आमी हे विशीं समाजाक (पालकांक) कशे तरेन समजायतले, हें आमचे मुखा वयलें खूब व्हड आव्हान आसा.

***आपले भाशेंत वाचतकीच...***

*राजस्थान राज्य सेवा परिक्षेंत हिंदी माध्यमांत पयल्या यत्नांतच टॉपराचे श्रेणींत (2007 वर्सा तिसरी सुवात) जैतीवंत जाल्ल्या जितेन्द कुमार सोनीन एक भोवच भोवमानास्पद उपलब्धी (एचिव्हमेंट) सांगल्या.*

*प्रस्न – हे परिक्षेंत हिंदी माध्यम घेवन तयारी करप आनी यश प्राप्त करप हे विंशी तुजे कितें विचार आसात?*

*सोनी – म्हजे नदरेन माध्यमाक लागून कांयच फरक पडना. ज्या माध्यमांतल्यान आमी आमची अभिव्यक्ती आनी समजणी प्रभावीपणान उकतावंक शकतात, तेंच माध्यम आमचे खातीर उपेगी आसता आनी उचीतय आसता. हालींसरांतले निकाल हिंदी विशींचो पूर्वग्रह पयस करपी आसात.*

*– प्रतियोगिता दर्पण/जानेवारी/2010, पान 46–48*

- माध्यम–भाशेंतल्या शिक्षणा विशीं समाजा मुखार मुखेलपणान दोन प्रस्न आसात – एक पोट भरपाची सुविधा आनी दुसरी समाजीक प्रतिश्ठा वा मानसन्मान. ह्या दोनूय प्रस्नांचेर जापो सोदपाचे नदरेन एके व्हड समाजीक सज्जतायेची गरज उप्रासल्या, जांतूत प्रसार–माध्यमांची (मिडियाची) व्हड भूमिका आसूं येता. इंग्लीश हें शिकपाचें एकमेव माध्यम न्हय, हे विशीं समाजांतल्या विंगड विंगड घटकां मदीं आनी पालकां मदीं विस्वास उत्पन्न करचो पडटलो.
- हाचे खातीर विंगड विंगड मळा वयल्या, आवयभाशेंत शिकून आपापल्या मळार व्हड जाल्ल्या आनी जैत जोडिल्ल्या महत्वपूर्ण व्यक्तींच्यो मुलाखती आनी तांचे अणभव मिडियाच्या (प्रिंट, इलॅक्ट्रॉनिक, पथनाट्य आदी) माध्यमांतल्यान तांचे मेरेन पावोवचे पडटले.
- आपले भाशेंत शिकून समर्थ जाल्ल्या तरणाट्यां कडेन केल्ली भासाभास तशेंच

तांचें अणभव-कथन मिडिया वरवी पालकां मेरेन पावोवंक जाय, जाका लागून (इंग्लीश भास म्हणल्यारच जैताची चावी) ही गैरसमजणी पयस जातली.

**_रोजगाराचें आव्हान - 1_**

_आयज बाजाराची भाशा इंग्लीश आसा. फकत भाशीक गिन्यानाचेर इंग्लीश जाणपी उमेदवाराक बेगीन रोजगार मेळटा. हाचे उरफाटें देशी भासो जाणा जावपी कुशल उमेदवार रोजगाराचे सर्तींत फाटीं पडटा. पूण कित्याक? हांगाच्या विदेशी भोवराष्ट्रीय कंपन्यांचें समजणेचें माध्यम इंग्लीश आसा. रोजगारा खातीर समजणेच्या माध्यमाचे नदरेन सरकाराक चिंतचें पडटलें आनी आपल्या कांय धोरणानी बदल करचो पडटलो. आयज पुराय संवसारांत मंदीचें ल्हार आयलां आनी ताका लागून फकत इंग्लीश शिकून रोजगार मेळोवप शक्य ना, हें लोकांक पटपाक लागलां. ह्यो शक्यतायो वास्तवांत बदलपाचें आव्हान सरकारा मुखार आसा._

_- एक वांटेकार_

- कांय अश्या शाळांच्यो देखी मुखार दवरूंक जाय, जांणी आवयभाशेंत शिक्षण दिवन व्हड व्यक्ती घडयल्यात - देखीक नेतरहाट, सरदार पटेल विद्यालय आदी. हांतूत  सरकारी शाळांचो आसपाव मुखेलपणान करूंक जाय.
- हे समाजीक सज्जतायेंत शिक्षकांची भुमिका म्हत्वाची आसा. शिक्षकांनी पालकां वांगडा अशे तरेच्यो बसका घडोवन हाडच्यो, जांतूत आवयभाशेचें महत्व केस स्टडी आदींच्या माध्यमांतल्यान सांगचें.
- रोजगारा संबंदांतली आडखळ पयस करपाचे नदरेन उद्देग-धंद्यांनी स्व-भाशेच्या महत्वाचेर, विंगड विंगड रोजगारांनी वा मळांचेर (देखीक दोतोर, आय.ए.एस. आदी) आवयभाशेचो उपेग मतींत घेवन काणयांच्या रुपांत पथनाट्यां बी बरोवन जाग्या-जाग्यार (गांवांतल्या आनी शारांतल्या शाळांनी) सादर करचीं; हांतूत कांय एन.जी.ओं. चो आदार घेवं येता.
- शाळेंतलो शिक्षक ताची जापसालकी निभावपांत असमर्थ जायत चल्ला, भुरग्यांक तांचे आवयभाशेंत शिक्षण मेळना, अशे स्थितींत थंयच्या विद्यालयांचें प्रशासन/वेवस्थापन आनी विद्यालयांचे प्राचार्य/मुख्याध्यापक हांची जबाबदारी जाता, तांणी भुरग्यांक मायभाशेंत शिक्षण दिवपा खातीर शिक्षकांक प्रोत्साहीत करचे. हाचे खातीर तांणी थंयच्या समाज गटांची मदत लेगीत घेवं येता. भुरग्यांचे

गिन्यान-निर्मणे खातीर भुरगीं, शिक्षक आनी समाजा मदीं मुख्याध्यापकान एक पूल कसो जावन काम करचें. हाचे खातीर तांणी आपली प्रशासकी धोरणां सदळ करचीं.

## प्रशासकी सज्जताय

- खऱ्या अर्थान गांवागांवांनी आनी भुरग्या-भुरग्या मेरेन शिक्षण पावोवपाचे नदरेन राज्य पांवड्यार आमकां भरपूर तयारी करची पडटली. शिक्षण ही राज्य आनी केंद्र हांची एकवटीत जबाबदारी आसा. आवयभाशेंत शिक्षण दिवपा खातीर राज्याक दरेका पांवड्यार म्हणल्यार समाज, प्रशासन, विद्यालयीन वेवस्थापन, शिक्षक आदी सगल्यां मदीं ताळमेळ घडोवन हाडूंक भरपूर तयारी करची पडटली.

***उच्च शिक्षण – एक आव्हान***

*जेन्ना एखादें भुरगें आपले आवयभाशेंत शिक्षण घेवन उंचेल्या शिक्षणा खातीर विद्यापिठांत पावता, तेन्ना प्रस्न उप्रासता, ताचे आवयभाशेंत शिक्षण दिवपा खातीर विद्यापिठा कडेन सुविधा आसा? जर तश्यो सुविधा नात जाल्यार त्या भुरग्याक आपले आवयभाशेंत परिक्षा दिवपाचो अधिकार आसा व्हय? जर हय जाल्यार ताचे प्रस्नपत्रिकेची मोलावणी इंग्लीश माध्यमाच्या विद्यार्थ्यां सारकी जातली व्हय? भुरग्याक आपलो पीएच. डी. प्रबंध आपले आवयभाशेंत बरोवंक जाता व्हय? उच्च शिक्षणाच्या समजणेच्या माध्यमाचो प्रस्न आमचे खातीर, विद्यापिठां खातीर तशेंच देशा खातीर लेगीत सगल्यांत व्हड समस्या आसा.*

- हे सज्जतायेंत केंद्राची अहम भुमिका आसतली. केंद्राची ती जबाबदारी आसा. ताणें राज्यां कडेन संबंद प्रस्थापीत करचे. हाचे खातीर शिक्षक, समाज, पालक आदी सगल्यां सयत परिसंवाद, परिचर्चा, चर्चासत्रां घडोवन हाडचीं पडटलीं. हाचे उपरांत केंद्र सरकाराक हे गजालीची अंमलबजावणी करपाचे नदरेन राज्यांक वांगडा घेवन शिक्षक आनी प्रशिक्षक तयार करचे पडटले, जाका लागून भुरग्यांक आपले भाशेंत उलोवपाची, बरोवपाची, वाचपाची आनी संवाद करपाची संद मेळटली.
- आतां शिक्षणाचो अधिकार कायदो पारीत जाला. ताचे खाला विद्यालय समित्यांक कांय अधिकार दिवचे पडटले. विद्यालय वेवस्थापन समिती वरवी समाजाची भागीदारी सुनिश्चीत करची

पडटली. राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाची रूपरेखा–2005 लेगीत म्हणटा, अशें केल्ल्यान विद्यालय वेवस्थापनां चड लवचीक जातलीं. थळाव्या रुपांत पाठ्य–सामुग्री तयार करपाची भुमिका तीं निभावंक शकतलीं. हाचेरय विचार करपाची गरज आसा. ही एक बरी पद्दत थारूं येता.

- शिक्षणाचो अधिकार कायदो लागू जातकीच, लाखांनी शिक्षकांचें पुनर्स्थापन करपाचीय बी गरज लागतली. इतले व्हड संख्येन शिक्षक येतकीच व्हडा संख्येन तांच्या खातीर प्रशिक्षण संस्थाय बी स्थापन करच्यो पडटल्यो, हाचेरय विचार जावपाची गरज आसा.
- भुरग्यांचे भाशेंत पुस्तकां उपलब्ध करपाचे नदरेन एक कृती–येवजण तयार करची पडटली.
- ह्या संबंदांत राज्य सरकार आनी शिक्षकांचेर एक भोवच व्हड जबाबदारी येता. भुरग्यांचे भाशेंत पाठ्यपुस्तक तयार करूंक घडये खूब काळ लागत. ह्या दीर्घ काळा मजगतीं राज्य सरकार आनी शिक्षक हांचे मदलो हे संबंदांतलो संवाद सेगीत चालू दवरचो पडटलो. हे विशीं केंद्र सरकाराची कांय हरकत आसची ना. खरेपणान हो राजकी आनी प्रशासकी निर्णय आसा.
- आमच्या देशांत जायत्यो भासो आसात. म्हणून भुरग्यां खातीर तयार जावपी पाठ्य–सामुग्रींत आमकां ते–ते भाशेंतल्यो लोकांकाणयो, लोकागितां आनी लोककला आदींचो लेगीत आसपाव करचो पडटलो. दरेके भाशेंत स्रेश्ठ लेखक आसात. तांच्या आदारान लेगीत पाठ्य–सामुग्री तयार करूं येता.
- समजणेची भाशा दोळ्यां मुखार दवरून सद्याच्या शिक्षक–प्रशिक्षण उपक्रमांच्या अभ्यासक्रमांनी बदल करचो पडटलो.
- भाशे संबंदी संशोधनांनी आपापल्यो भासो आनी हिंदी हांचे भितर चड बरीं संशोधनां करपाची गरज आसा.
- हिंदी आनी हेर भारतीय भासांनी मुळाव्या रुपांत विज्ञान, समाजविज्ञान आनी कला आदी विशींचीं पुस्तकां बरोवपाचेर भर दिवंक जाय. हाचे खातीर विद्यापिठां कडेन लेगीत संपर्क सादचो पडटलो.
- संदर्भ पुस्तकांचे/पाठ्यपुस्तकांचे इंग्लिशींतल्यान हिंदींत आनी हेर भारतीय भासांनी अणकार करचे पडटले तशेंच द्विभाशी वा भोवभाशी शब्दकोश लेगीत तयार करचे पडटले.

- पयली ते पांचवी यत्ते मेरेन टप्प्याटप्प्यान कांय विशय भुरग्यांचे भाशेंत शिकपाचेर–शिकोवपाचेर भर दिवचो पडटलो. हाचे खातीर तांची समज घटमूट करपाचे नदरेन कांय खाजगी शाळां कडेन लेगीत संवाद करचो पडटलो.
- विद्यापिठाच्या जोड पालवान भास, समाजविज्ञान, विज्ञान आदींच्या शिक्षणा विशीं कोर्स चलोवपाचेर विचार करूंक जाय. ह्या कोर्सांनी 'आपले भाशेंत विशयांचे समजणेचें महत्व' हाचेर खाशेलो भर दिवंक जाय.

### *रोजगाराचें आव्हान – 2*

*दिल्लीच्या उत्तर पश्चीम जिल्ल्यांत, आशियेंतल्या सगल्यांत व्हड 'आझादपूर' सब्जी–मंडीच्या मुखा वयल्या मार्गार एक व्हड पुनर्वशीत वस्ती आसा – जहांगीरपुरी. बादशाह जहाँगीराचे पातशायेचो झेत हांगा रावपी दरेके व्यक्तीच्या वेव्हारांत झळकता. हे वस्तीच्या एका टोंकार सुकपाच्या मार्गार पाविल्ली भलस्वा झर आसा. जाल्यार दुसरे वटेन एक न्हय तर, जायत्यो झरी आसात, जांकां वस्तींतले लोक जिवनदान दितात. हे वस्तींत उद्देगीक प्रशिक्षण संस्था (आय.टी.आय.) लेगीत आसा, जांतूत प्लंबिंग, स्पायनिंग, डाइंग, फिटर, प्रिंटिंग अश्या जायत्या वेवसायीक कौशल्यांचें प्रशिक्षण दितात. गजाल हे वस्तीचे शिमेर वशिल्ले 'अयोध्या टॅक्सटायल' आनी आय.टी.आय. च्या अप्रूप संबंदांची. हे सूत–गिरणींत कापड तयार करपाचो आनी ताचेर छापणावळ करपाचो वावर चलतालो. ह्या वावरा कडेन संबंदीत प्रशिक्षणाचो अभ्यासक्रम आय.टी.आय. त चलतालो. अजापाची गजाल म्हणल्यार हांगा प्रशिक्षण घेतिल्ल्या तरणाट्यांक हांगाचे मिलींत काम मेळ नाशिल्लें. पूण अप्रशिक्षीत लोकांक थंय नोकऱ्यो मेळटाल्यो. सगल्यांक दिसतालें, प्रशिक्षीत कामगारांक चड पगार दिवचो पडटलो, म्हूण घडये तांकां नोकरी दिनात. पूण आय.टी.आय.चे शिक्षक आनी प्रशिक्षणार्थी हांणी जेन्ना मिलीच्या कामगारां कडेन भासाभास केली तेन्ना गजाल स्पश्ट जाली. आय.टी.आय.त पुराय प्रक्रियेची माहिती इंग्लीश वा प्रमाण–हिंदी भाशेंत दिताले. मिलींतले कामगार थळावे/ देशी उतरावळीचो वापर करताले. ती उतरावळ आय.टी.आय. तल्यान भायर सरपी तरणाट्यांक कळनाशिल्ली. अखेरेक कामगारांचे देशी तंत्रीक उतरावळीची आय.टी. आय. च्या अभ्यासक्रमा कडेन जोडणी केली. त्या आनी हेर अभ्यासक्रमांनी अशे तरेचे यत्न केले आनी आतां थळाव्या मिलींनी आय.टी.आय. तल्या तरणाट्यांक नोकरी मेळपाचो मार्ग मेकळो जालो.*

*– एक वांटेकार*

# परिशिश्ट–1

## राज्यांनी विंगड विंगड पांवड्याचेर माध्यम–भासो

| क्र. | राज्य | प्राथमीक | माध्यमीक | उच्च माध्यमीक |
|---|---|---|---|---|
| 1 | आंध्र प्रदेश | तेलुगू, उर्दू, ओडिया, इंग्लीश, हिंदी, मराठी, कन्नड, तमिळ | तेलुगू, उर्दू, ओडिया, इंग्लीश, हिंदी, मराठी, कन्नड, तमिळ | तेलुगू, उर्दू, ओडिया, इंग्लीश, हिंदी, मराठी, कन्नड, तमिळ |
| 2 | अरुणाचल प्रदेश | इंग्लीश, हिंदी | इंग्लीश | इंग्लीश |
| 3 | आसाम | आसामी, बंगाली, बोडो, इंग्लीश | आसामी, बंगाली, बोडो, इंग्लीश, हिंदी, हेर | आसामी, बंगाली, बोडो, इंग्लीश, हिंदी, हेर |
| 4 | बिहार | हिंदी, उर्दू, संस्कृत, इंग्लीश | हिंदी, उर्दू, संस्कृत, इंग्लीश | हिंदी, उर्दू, संस्कृत, इंग्लीश |
| 5 | छत्तीसगड | हिंदी, हेर | हिंदी, हेर | इंग्लीश, हिंदी |
| 6 | गुजरात | गुजराती | इंग्लीश, गुजराती, हिंदी | इंग्लीश, गुजराती, हिंदी |
| 7 | गोवा | इंग्लीश, कोंकणी, मराठी, उर्दू, कन्नड | इंग्लीश, मराठी | इंग्लीश, मराठी |
| 8 | हिमाचल प्रदेश | इंग्लीश, हिंदी | इंग्लीश, हिंदी | इंग्लीश, हिंदी |
| 9 | हरियाणा | इंग्लीश, हिंदी | इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत | इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत |
| 10 | जम्मू आनी काश्मीर | डोगरी, इंग्लीश, हिंदी, काश्मिरी, उर्दू | डोगरी, इंग्लीश, हिंदी, काश्मिरी, उर्दू | डोगरी, इंग्लीश, हिंदी, काश्मिरी, उर्दू |
| 11 | झारखंड | इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत | बंगाली, इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत | बंगाली, इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत |
| 12 | कर्नाटक | कन्नड, इंग्लीश, हिंदी, मराठी, तमिळ, तेलुगू, उर्दू, मलयाळम, संस्कृत, अरबी | कन्नड, इंग्लीश, हिंदी, मराठी, तमिळ, तेलुगू, उर्दू, मलयाळम, संस्कृत, अरबी | कन्नड, इंग्लीश, हिंदी, मराठी, तमिळ, तेलुगू, उर्दू, मलयाळम, संस्कृत, अरबी |
| 13 | केरळ | मलयाळम, इंग्लीश, तमिळ, कन्नड | मलयाळम, इंग्लीश तमिळ, कन्नड | मलयाळम, इंग्लीश तमिळ, कन्नड |
| 14 | मध्य प्रदेश | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू, मराठी | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू, मराठी | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू |
| 15 | महाराष्ट्र | मराठी, हिंदी | इंग्रजी, मराठी, हिंदी | इंग्रजी, मराठी, हिंदी |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 16 | मणिपूर | इंग्लीश, हिंदी, मणिपुरी | इंग्लीश, हिंदी, मणिपुरी | इंग्लीश, हिंदी, मणिपुरी |
| 17 | मेघालय | इंग्लीश, गारो, खासी | इंग्लीश | इंग्लीश |
| 18 | मिझोरम | मिझो, इंग्लीश | मिझो, इंग्लीश | मिझो, इंग्लीश |
| 19 | नागालँड | अंगामी, आवो, इंग्लीश, हिंदी, कोन्यक, लोथा, सेमा | अंगामी, आवो, इंग्लीश, हिंदी, कोन्यक, सेमा | अंगामी, इंग्लीश, हिंदी |
| 20 | ओरिसा | इंग्लीश, ओडिया | इंग्लीश, हिंदी, ओडिया | इंग्लीश, हिंदी, ओडिया, संस्कृत |
| 21 | पंजाब | इंग्लीश, हिंदी, पंजाबी | इंग्लीश, हिंदी, पंजाबी | इंग्लीश, हिंदी, पंजाबी |
| 22 | राजस्थान | हिंदी | हिंदी | हिंदी |
| 23 | सिक्किम | इंग्लीश | इंग्लीश | इंग्लीश |
| 24 | त्रिपुरा | बंगाली, कोकबोरोक, इंग्लीश | बंगाली, इंग्लीश | बंगाली, इंग्लीश |
| 25 | तमिळनाडू | इंग्लीश, तमिळ | तमिळ, तेलुगू, मलयाळम, उर्दू, कन्नड | तमिळ, तेलुगू, मलयाळम, उर्दू, कन्नड |
| 26 | उत्तराखंड | हिंदी | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू |
| 27 | उत्तर प्रदेश | हिंदी | इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत | इंग्लीश, हिंदी, संस्कृत |
| 28 | पश्चिम बंगाल | बंगाली | बंगाली, हिंदी, इंग्लीश, उर्दू, ओडिया, तमिळ, तेलुगू, गुजराती, तिबेटी, नेपाळी | बंगाली, हिंदी, इंग्लीश, उर्दू, ओडिया, तमिळ, तेलुगू, गुजराती, तिबेटी, नेपाळी |
| 29 | अंदमान आनी निकोबार | बंगाली, इंग्लीश, हिंदी, तमिळ, तेलुगू | बंगाली, इंग्लीश, हिंदी, तमिळ, तेलुगू | बंगाली, इंग्लीश, हिंदी, तमिळ, तेलुगू |
| 30 | चंदिगड | इंग्लीश, हिंदी, पंजाबी | इंग्लीश, हिंदी, पंजाबी | इंग्लीश, हिंदी, पंजाबी |
| 31 | दादरा आनी नगर हवेली | इंग्लीश, गुजराती, हिंदी, मराठी | इंग्लीश, गुजराती, हिंदी, मराठी, संस्कृत | इंग्लीश, गुजराती, हिंदी, मराठी, संस्कृत |
| 32 | दमन आनी दीव | गुजराती, इंग्लीश | गुजराती, इंग्लीश | गुजराती, इंग्लीश |
| 33 | दिल्ली | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू | इंग्लीश, हिंदी, उर्दू |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| 34 | लक्षद्वीप | मलयाळम | इंग्लीश, मलयाळम | इंग्लीश, मलयाळम |
| 35 | पुदुच्चेरी | इंग्लीश, तमिळ | इंग्लीश, तमिळ | इंग्लीश, तमिळ |

*स्रोत* – इंप्लिमेंटेशन ऑफ थ्री लँग्वेज फॉर्मुला इन इंडियन स्कूल्स – ए स्डडी, भाशा विभाग, एन.सी.ई.आर.टी., नवी दिल्ली, 2009, पान 80-83

हालीं तेंपार जायत्यो आदिवासी क्षेत्रांतल्यो भासो, माध्यम भाशेच्या रुपांत चलणुकेंत येवंक लागल्यात आनी त्या भासांनी प्राथमीक पांवड्याचेर सामुग्री लेगीत तयार जावंक लागल्या, ही खोशयेची गजाल आसा. फुडाराक चड संख्येन भारतीय भासो (आदिवासी क्षेत्रांतल्या भासां सयत) माध्यम भाशेच्या रुपांत वापरांत येवच्यो, होच हे पुस्तिकेचो उद्देस जावन आसा.

# संदर्भ


- शिक्षा आयोग की रिपोर्ट, 1964–66, शिक्षा मंत्रालय, 1966.
- राष्ट्रीय शिक्षा नीति 1968, शिक्षा मंत्रालय.
- क्रियान्वयन का कार्यक्रम 1992 (राष्ट्रीय शिक्षा नीति 1986), शिक्षा विभाग, शिक्षा मंत्रालय.
- राष्ट्रीय पाठ्यचर्या की रूपरेखा स्कूली शिक्षा 2000, एन.सी.ई.आर.टी.
- राष्ट्रीय पाठ्यचर्या की रूपरेखा 2005, एन.सी.ई.आर.टी.
- भारतीय भाषाओं का शिक्षा, आधार पत्र 1.3, 2006, एन.सी.ई.आर.टी.
- पटनायक, डी.पी. 1986, स्टडी ऑफ लैंग्वेज. रिपोर्ट. नई दिल्ली एन.सी.ई.आर.टी.
- भारतीय भाषाओं का शिक्षण, आधार पत्र 1.3, 2006, एन.सी.ई.आर.टी.,
- गांधी, एम. के. हिंद स्वराज भारतीय मत, 1909
- बच्चों के मुफ्त और अनिवार्य शिक्षा का अधिकार अधिनियम, 2009, कानून और न्याय मंत्रालय (विधन विभाग), भारत सरकार
- चॉम्स्की, एन.1959. रीव्यू ऑफ स्कीनर्स वर्बल बिहेवियर. लैंग्वेज 35.1: 26–58
- व्योगोत्स्की, एल. एस. 1978. माइंड इन सोसाइटी: द डेवेलपमेंट ऑफ हायर साइकोलॉजिकल प्रॉसेस. कैंब्रिज, मासः हार्वर्ड यूनिवर्सिटी प्रेस.
- कूपर, के. (2009). लैंग्वेजः आवर मीडियम ऑफ अंडरस्टैंडिंग. जर्नल ऑफ इण्डियन एजुकेशन, वॉल्यूम दददत, नंबर. 1. नई दिल्ली: एन.सी.ई.आर.टी. (खडडछ: 0972– 5628)
- कपूर, के. ईएलटी एंड सोशल जस्टिस इन मल्टीलिंगुअल क्लासरूम. बेबीलोनया, टेमा 1, 2021, पृ. 24.
- भारतीय भाषाओं का शिक्षण, आधार पत्र 1.3, 2006, एन.सी.ई.आर.टी.
- होल्ट, जॉन. शिक्षा की बजाय. न्यू: बैलेंटाइन बुक्स, 1974.
- अंग्रेजी शिक्षण, आधार पत्र 1.4, 2006, एन.सी.ई.आर.टी.
- प्रभु. एन. एस. 1987. सेकेंड लैंग्वेज पेडागॉजी. ऑक्सफोर्डः न्यूयॉर्क: ऑक्सफोर्ड यूनिवर्सिटी प्रेस.

- डोवेरा, एस. 2005. इलेक्टिसिज्म इन मेथोडोलॉजी. एमएस., एनएफजी. इंग्लिश.
- फेलिक्स, पॉल. 1998. लर्निंग टू रीड इंग्लिशः द मिक्सड कोड वे. इन विवियन बेरी एण्ड ऑर्थर एमसी नेल (सम्पा.) पॉलिसी एण्ड प्रक्टिस इन लैंग्वेज एजुकेशन. हांग कांगः डिपार्टमेंट ऑफ करिकुलम स्टडीज, यूनिवर्सिटी ऑफ हांग कांग. पृष्ठ.175–193
- वेस्ट, माइकल. 1941. लर्निंग टू रीड अ फॉरन लैंग्वेज लोंगमैन यूके. (लर्निंग टू रीड अ फॉरन लैंग्वेज, एण्ड अदर एसेस ऑन लैंग्वेज टीचिंग. (न्यू एड.). लंदन, न्यूयॉर्क, लोंगमैन, ग्रीन (1955)
- मैथ–मेजिक, किताब 2, कक्षा दूसरी के लिए गणित की पाठ्यपुस्तक, एन.सी.ई.आर.टी., 2007
- लुकिंग अराउंड, ऐंवायर्मेंट, स्टडीज, कक्षा तीसरी के लिए पाठ्यपुस्तक, एन.सी.ई.आर. टी. 2006
- वितान, भाग–1, कक्षा ग्यार्वी के लिए सप्लिमेंट्री रीडर हिंदी में, एन.सी.ई.आर.टी., 2006 हरीजन, 9–7, 38, पृष्ठ संख्या 177, महात्मा गाँधी के चयनित कार्य (खंड V) द वॉइस ऑफ टुर्थ (कंप्लीट बुक ऑनलाइन) भाग–II खंड XI : बेसीक एजूकेशन एंड स्टूडेंट बेसीक एजूकेशन)
- https://www.mkgandhi.org/voiceoftruth/basiceducation.htm> रीड अ
- राष्ट्रीय शिक्षा नीति 2020, अध्याय 4.11, 4.12, 4.14, 4.18, 22.6, 22.20
- भारतीय भाषाओं का शिक्षण, राष्ट्रीय फोकस समूह का आधार पत्र


* * *

**पुराय शिक्षण विद्यार्थ्यांचे प्रादेशीक–भाशेंत (आवयभाशेंत) दिवंक जाय.**

**– नई तालीम, महात्मा गांधी**

**शिक्षणांत आवयभास भुरग्या खातीर आवयच्या दुदा सारकी आसता. जो मेरेन आवयभाशेक शिक्षणाचें माध्यम करिनात, तो मेरेन शिक्षणाचें सार्वत्रिकीकरण शक्य ना.**

**– रवीन्द्रनाथ टागोर**

चडावत माहिती खातीर उपकार करून ‘www.ncert.nic.in’ क भेट दियात वा कॉपीरायट पानाचेर दिल्ल्या नाम्याचेर वाणिज्य वेवस्थापका कडेन संपर्क करात.

32143

विद्यया ऽ मृतमश्नुते

एन सी ई आर टी
NCERT

राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ
NATIONAL COUNCIL OF EDUCATIONAL RESEARCH AND TRAINING

ISBN 978-93-5292-706-7